# साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक अभ्यास

**(Sãshti Vãttãrãntlea Mukhel Festãncho Sonskrutik Ani Samãjik Abhyas)**

A Dissertation for

Course code and course title : KON 650 प्रबंधिका

Credits : 16

Submitted in partial fulfillment of Masters Degree

M. A in Konkani

By

Ms. ANDREA SAVIA BAPTISTA

Seat No. 22P0180001

ABC ID : 296006885736

PR No. 201907360

Under the Supervision of

DR. HANUMANT CHOPDEKAR

Shenoi Goembab School Of Languages And Literature

Discipline Of Konkani

GOA UNIVERSITY

APRIL 2024

Examined by : Seal of the School

## DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitled, "साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक अभ्यास' (A Cultural and Social Study of the Major Feasts in the Sãshti Region) is based on the results of investigations carried out by me in the Discipline of konkani at the Shenoi Goembab school of languages and Literature, Goa University under the Supervision of Dr. Hanumant Chopdekar and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree Or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings Given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the Dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it Available to any one as needed.

ABaptista

Andrea Savia Baptista

Seat no: 22P0180001

Date: 16/04/24

Place: Goa University

## COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report "साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक अभ्यास' (A cultural and social study of the major feasts in the sãshti region) is a bonafide work Carried out by Ms. Andrea Savia Baptista under my supervision in partial Fulfilment of the requirements for the award of the degree of **Master of Arts** in the Discipline of konkani, Goa University.

Dr. Hanumant Chopdekar

Discipline of konkani, SGSLL

Date: 16/04/24

Prof. Anuradha Wagle

Dean, Shenoi Goembab school of languages and literature

Date: 16/04/24

Place: Goa University

GOA UNIVERSITY SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE TALEIGAON PLATEAU

School Stamp

## उपकाराचीं उतरां

**'साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक अभ्यास'** ही प्रबंधिका पुराय करून उजवाडाक हाडटना म्हाका खूब खोस भोगता. ह्या प्रबंधिकेचो विशय निवडटना म्हज्या साश्टी वाठाराच्या वा म्हज्या धर्माच्या संबंदान विशय निवडचो हो विचार म्हज्या मनांत आयलो. हो विचार फुडें व्हरपाचें आनीक एक कारण म्हणल्यार 'फेस्तां' हीं गोंयचें संस्कृतीक दायज जावन आसा जांचें दस्तावेजीकरण जावप गरजेचें. ह्या विशयांत संशोधन करपाची म्हजी इत्सा आनी आवड जाणून घेवन म्हजे मार्गदर्शक डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांणी संशोधन वावराच्या सुरवातेक ते निमणे मेरेन योग्य रितीन मार्गदर्शन केल्ले खातीर तांचे उपकार मानता. तांच्या मार्गदर्शना खाला ही प्रबंधिका पुराय जावंक पावली. ही प्रबंधिका तयार करतना तांणी म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो दिवन, म्हज्या वावराचेर संस्कार करून तशेंच हो वावर आकारान हाडपाचें काम केलें म्हणून तांकां काळजांतल्यान देव बरें करूं म्हणटां.

*'At the end of the day the most overwhelming key to a child's success is the positive involvement of parents'* - Jane D Hull.

म्हज्या आवय बापायन जिविताच्या दर एका खिणाक, कसलोय वावर करपाक, सदांच फुडें सरपाक तशेंच हो प्रबंधिकेचोय वावर पुराय करपाक प्रोत्साहन दिलें देखून तांकां तशेंच म्हज्या आजयेक आनी भयणीक हांव देव बरें करूं म्हणटां. तांच्या सहकार आनी आशिर्वादाक लागून ही प्रबंधिका हांव पुराय करपाक पावलें. हो सोदवावर करतना पावलाकणकणी फेस्तां विशीं फावो ती म्हायती दिवन म्हाका मदत केल्ले खातीर हांव फा. लेज्ली गोम्स हांचें उपकारी. ह्या विशया विशीं चडांत चड म्हायती वेगवेगळ्या लोकांच्या मुलाखतींतल्यान म्हाका मेळ्ळी देखून तांकां

सगळ्यांक म्हजे दिनवास. ह्या सोदवावरा खातीर संदर्भ पुस्तकां आनी साहित्य सोदपा खातीर गोंय विद्यापीठ ग्रंथालय ताळगांव, कोंकणी अकादमी पणजी, कृष्णदास शामा राज्य केंद्र ग्रंथालय पणजी, डॉ फ्रांसिस्कू लुईस गोमिश ग्रंथालय नावेली ह्या सगळ्यां ग्रंथालयांचे ग्रंथपाल आनी कर्मचारी हांणी आदार दिल्ले खातीर तांचे हांव उपकार आटयता. ही प्रबंधिका पुराय करपाक ज्या लोकांचो प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्षपणान आदार लाभलो त्या सगळ्यांचो हांव मनाकाळजासावन उपकार मानता.

ह्या म्हज्या उपकाराच्या उतरांत म्हाका एका गजालीचो मुद्दम उल्लेख करूंक दिसता ती म्हणल्यार एम. ए. कोंकणी भाग 2 हाच्या तिसऱ्या सेमेस्टराक KON - 600 ‘संशोधन पद्दती’ हो पेपर शिकपाची संद मेळिल्ल्या कारणान ताचो फायदो म्हाका ह्या प्रबंधिकेच्या वावरा वेळार जालो. ‘साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक अभ्यास’ ह्या विशयाक हांवें हे प्रबंधिकेंत न्याय दिवपाचो प्रयत्न केला. फुडाराक ह्या विशयाचेर आदारीत आनीकूय वावर करपाची संद मेळ्ळी जाल्यार हांव निश्चीतूच ताचेर काम करतलें. हांवें केल्लो हो सोदवावर वाचकांक मानवतलो तशेंच हाचो फायदो चडांत चड लोकांक आनी खास करून विद्यार्थ्यांक जातलो अशी आस्त बाळगितां. देव बरें करूं.

**तारीख : 16/04/24** **कु. एन्ड्रिया साविया बाप्तिस्ता**

## प्रबंधिकेचो सारांश

हे प्रबंधिकेंत ‘साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक अभ्यास’ केला. हो सोदवावर करून साश्टी वाठारांत मनयिल्ल्या फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक नदरेन नियाळ केल्लो आसा. हो अभ्यास करतना ह्या फेस्तांची धर्मीक नदरेंतल्यान वळख जाल्ली आसा. साश्टी वाठारांतल्या फेस्तांचो अभ्यास करून विशयाचे संबंदीत पुराय म्हायती पांच अध्यायांनी मांडपाचो प्रयत्न केला. देखीक :-

1. प्रस्तावना आनी विशय प्रवेश.
2. साश्टी वाठार आनी ह्या वाठारांतल्या फिर्गजेची फेस्तां.
3. क्रिस्ती धर्मांतल्या फेस्तांची सुपुल्ली वळख.
4. साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांची धर्मीक आनी संस्कृतीक वळख
5. निश्कर्श

पयल्या त्या चवथ्या अध्याया मेरेन जितली म्हायती ह्या प्रबंधिकेंत मांडिल्ली आसा, ताची पांचव्या अध्यायांत चिकित्सा केल्ली आसा. हो अभ्यास करताना एक गजाल लक्षांत आयली ती म्हणल्यार फेस्तांचो समारंभ फकत संस्कृतायेचो वांटो म्हणून जायना पूण तांचे फाटलो समाजीक संदेश समाज प्रबोधनाचें कार्य जावन आसा. फेस्तांच्या निमतान लोकांमदीं संस्कृतीक तसोच धर्मीक एकचार आमकां पळोवपाक मेळटा. फेस्तांच्या आयोजना फाटलो सकारात्मक विचार तशेंच

परिस्थितिकीचो विचार जाणवता. फेस्तांतलो भावार्थ आनी श्रध्दा, फेस्तांतली धर्मीक प्रार्थना, लोकांचें समाजीकरण, फेस्तां मदल्यो नश्ट्यो परंपरा, फेस्तांतली परंपरा ह्यो सगळ्यो गजाली ह्या प्रबंधिकेंत आस्पाविल्ल्यो आसा. एकंदर, ही फेस्तां समाज उदरगतीक आदार करता हें हांगा स्पश्ट जाता.

# साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक अभ्यास

## विशयाची मांडावळ

**1. प्रस्तावना आनी विशय प्रवेश (11 - 19)**

1.1 विशयाची प्रस्तावना, वळख आनी मर्यादा

1.2 विशय निवडपा फाटलो हेतू

1.3 अभ्यास पद्दत

1.4 विशय प्रवेश

**2. साश्टी वाठार आनी ह्या वाठारांतल्या फिर्गजेची फेस्तां (20 - 29)**

2.1 साश्टी वाठाराची भुगोलीक आनी इतिहासीक वळख

2.2 साश्टी वाठाराची समाजीक आनी संस्कृतीक वळख

2.3 साश्टी वाठारांतल्या फिर्गजेच्या फेस्तांचो तकटो

**3. क्रिस्ती धर्मांतल्या फेस्तांची सुपुल्ली वळख : (30 - 43)**

3.1 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक जेझूची फेस्तां

3.2 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक सायबिणीचीं फेस्तां

3.3 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक सांताचीं फेस्तां

3.4 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक खुर्साचीं फेस्तां

**4. साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांची धर्मीक आनी संस्कृतीक वळख : (44 - 86)**

**4.1 साश्टी वाठारांतलीं मुखेल सायबिणीचीं फेस्तां**

4.1.1 कार्म सायबिणीचें फेस्त

4.1.2 रूजाय सायबिणीचें फेस्त

**4.2 साश्टी वाठारांतलीं मुखेल सांताचीं फेस्तां**

4.2.1 सांत आंतोनिचें फेस्त

4.2.2 सांत जुझे वाझाचें फेस्त

4.2.3 सांत फ्रांसिस शाविएराचें फेस्त

4.2.4 सांत सेबास्तियांवाचें फेस्त

**4.3 साश्टी वाठारांतलीं मुखेल खुर्साचीं फेस्तां**

4.3.1 हांडी खुर्साचें फेस्त

4.3.2 बाराडी खुर्साचें फेस्त

**4.4 साश्टी वाठारांतलीं हेर मुखेल फेस्तां**

4.4.1 पुरुमेंताचें फेस्त

4.4.2 कोणसांचें फेस्त

4.4.3 मिनींन जेझूचें फेस्त

4.4.4 तीन रायांचें फेस्त

4.4.5 सांजाव

4.4.6 केळ्यांचें फेस्त

4.4.7 पेरांचें फेस्त

**5. निश्कर्श आनी समारोप :** **(87 - 98)**

5.1 निश्कर्श

5.2 समारोप

⁎ **आदारावळ :** **(99 - 101)**

⁎ **परिशिश्ट :** **(102 - 111)**

1) मुलाखती

2) उतरावळ

3) फोटो

# पयलो अध्याय

## 1. प्रस्तावना आनी विशय प्रवेश

1.1 विशयाची प्रस्तावना, वळख आनी मर्यादा

1.2 विशय निवडपा फाटलो हेतू

1.3 अभ्यास पद्दत

1.4 विशय प्रवेश

## 1. प्रस्तावना आनी विशय प्रवेश :-

प्रस्तूत प्रबंधिका गोंयच्या साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांच्या समारंभाचेर समाजीक आनी संस्कृतीक नदरेंतल्यान उजवाड घालता. ही प्रबंधिका गोंयच्या संस्कृतीक दायजाचेर आदारिल्ली आसा. ह्या प्रबंधिकेचो विशय निवडपा फाटलो हेतू, ताची गरज तशेंच मुखेल विशयांत आसपावपी हेर म्हत्वाचे विशय पांच अध्यायांनी मांडपाचो यत्न केल्लो आसा. तेचप्रमाण ह्या विशयाची समाजीक नदरेंतल्यान चिकित्सा करपाचो प्रयत्न केल्लो आसा.

### 1.1 विशयाची प्रस्तावना, वळख आनी मर्यादा :-

*हिऱ्या माणकांचें, भांगरा रुप्याचें*

*माणकुलें गोंय*

*पांचव्या रानांचें तांबडे मातयेचें*

*आमगेलें गोंय* [1]

गोंय हें भारतांतलें एक ल्हान राज्य. ह्या सोबीत आनी सुंदर अशा राज्याचें काळीज ताच्या गांवांनी दिसून येता. ह्या राज्याचें सैमीक वातावरण ओडलायणें आसा तशेंच वेग-वेगळ्या धर्मांचे लोक एकवटान रावतात. आमचो भारत देश नवीन विचारां कडेन जुडलेलो आसा पूण गोंयच्या गांवांनी आपली संस्कृताय सोडून दिवूंक ना. तातूंतल्यान ह्या गोंयची संस्कृतीक वळख घडटा.

कितलेशेच राजांनी ह्या राज्याचेर साबार वर्सां राज्य चलयलें. पुर्तुगेज मिशनरी गोंयांत आयल्या उपरांत तांणी क्रिस्ती धर्माची शिकवण गोंयकारांक दिली आनी कितल्याश्याच लोकांक क्रिस्ती धर्म आपणावपाक लायलो, अश्या तरेन क्रिस्ती धर्म गोंयांत स्थापीत जालो.[2] धर्मा वांगडा धर्माच्यो चाली रिती लेगीत लोकांनी आपणायल्यो.

प्रत्येक धर्माच्यो वेगवेगळ्यो सण-परबो आसात. ह्यो सण परबो मनोवपा फाटलीं वेगवेगळी कारणां आसात तशेंच लोकांचो भावार्थ चड म्हत्वाचो आसा. तेच प्रमाण लोकसंस्कृतायेचो भाग म्हणून ह्यो परबो मनोवप जाता. क्रिस्ती धर्मांत प्राचीत काळ सोंपल्या उपरांत इगर्जेच्या वा कोपेलाच्या पात्रोनाचें वा हेर सांताचें फेस्त मनोवप जाता.[3] क्रिस्ती धर्मांत मनयिल्लीं फेस्तां संस्कृतीक दायज जावन आसा.

आयज गोंय राज्याची उदरगत वेग-वेगळ्या मळांचेर जाल्ली आमकां दिसता. गोंयांत रावपी लोकांमदीं संस्कृतायेची मुळां आजूनय घट आशिल्लीं पळोवपाक मेळटा. आयचे पिळगेच्या मनांत सुद्दां आपल्या संस्कृती विशीं मान आसा आनी आपल्याकडेन जाता ते तरेन ही संस्कृताय आयज मेरेन तांणी तिगोवन दवरल्या.

काळ जसो जसो बदलत वता तसो तसो बदल आमकां दिसून येता. गोंयांत फेस्तां मनोवपाचे परंपरेंतूय थोडो भोव बदल जाल्लो आमकां दिसून येता. फुडल्या काळांत नवी पळगी ही फेस्तां मनोवपाची परंपरा तशेंच ही संस्कृताय फुडें व्हरूंक आनी तिगोवंक यशस्वी जातली काय ना

हें म्हत्वाचें. कारण आयच्या गोंयांत खुबशो पारंपारीक वस्तू फाटी पडिल्ल्यो आमकां दिसतात. देखीक : गोंयचो पारंपारीक वेवसाय, पारंपारीक शेती, पारंपारीक जिवन शैली आदी.

तरणाट्या पिळगेन हया पोरण्या आनी पारंपारीक वेवसायांक दुर्लक्ष करून तशेंच ह्या धंदयांक उणे लेखपी तांचे वृत्तीक लागून आयज हांतूंतले कांय पारंपरीक वेवसाय मरूंक पावल्यात तर काय मरून गेल्यात. हीच गत ह्या फेस्तां मनोवपाचे संस्कृतीक परंपरेची जावची न्हय पूण ह्या फेस्तांचें दस्तावेजीकरण जांवचें ह्या हेतान ह्या विशयाचेर संशोधन करपाक थारायलें.

क्रिस्ती धर्मांतलीं फेस्तां मनोवपाचे पद्दती भितर कांय साम्यता आसात जाल्यार कांय वेगळेपण आसा. प्रत्येक फेस्ताचें एक वेगळें खाशेलपण आसा. आदीं सावन चलत आयिल्ले रिती रिवाज धरून फेस्तां मनोवप जाता जातूंतल्यान संस्कृताय अभ्यासूंक मेळटा जाल्यार लोकांचो भावार्थ, एकवटान फेस्तां मनोवपाचे प्रक्रियेंतल्यान ताचें समाजीक म्हत्वूय अभ्यासूंक येता.

क्रिस्ती धर्मांतल्या फेस्तांचो नियाळ करताना एक लांब वळेरी दोळ्यां मुखार येता. प्रबंधिके खातीर पुराय क्रिस्ती धर्मांतल्या फेस्तांचो अभ्यास करूंक शकचें ना वा त्या विशयाक न्याय दिवंक पावचें ना ह्या खातीर फक्त साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो समाजीक आनी संस्कृतीक अभ्यास करचो म्हण ही मर्यादा घालून घेतल्या. हे मर्यादे प्रमाण

प्रबंधिकेचो विशय **"साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक अभ्यास"** निवडलो. फुडाराक कोणूय ह्या विशयाचेर अभ्यास करूंक सोदता जाल्यार तांणी हो विशय घेवंक येता कारण तांतूंत खूब म्हायती मेळटली आनी ह्या विशयाचेर एक प्रबंध लेगीत सादर करूं येता.

**1.2 विशय निवडपा फाटलो हेतू**

हो विशय निवडपा फाटलें मुखेल कारण म्हणल्यार ह्या विशयाचेर आयज मेरेन व्हड प्रमाणांत अभ्यास जावंक ना. हो विशय लोकसंस्कृतायेचो म्हत्वाचो भाग आशिल्ल्यान ताचें दस्तावेजीकरण जावप गरजेचें आसा तशेंच ह्या लोकसंस्कृतायेची जाण हेरांकूय मेळची हें हो विशय निवडपा फाटलें मुखेल कारण आसा. हो प्रबंधिकेचो वावर केल्ल्यान साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांची समाजीक आनी संस्कृतीक वळख जातली आनी तें फुडल्या अभ्यासकांक म्हत्वाचें आनी आदाराचें थारतलें.

फेस्तां विशीं जी म्हायती चड प्रमाणांत समाजांतल्या लोकां मदीं मौखीक स्वरुपांत आसा तें लिखीत स्वरुपांत दस्तावेज जातलें आनी ह्या लिखीत साहित्याचो वापर ह्या विशयांत सोद वावर करपी फुडल्या अभ्यासकांक आदाराचो जातलो. गोंयच्या संस्कृतायेचो अभ्यास करपी विद्यार्थ्यांक खास करून ही प्रबंधिका कोंकणी भाशेंत आशिल्ल्यान कोंकणी शिकपी विद्यार्थ्यांक शिक्षणाच्या मळार ताचो फायदो जातलो.

काळ जसो बदलत वता तशेंच फेस्तां मनोवपाचे पद्दतींत बदल जायत वता आनी फुडाराक ही फेस्तां मनोवपाची पद्दत पुराय तरेन बदलूंक शकता. ह्या प्रबंधिकेच्या आदारान फेस्तां मनोवपाची मुळावी पद्दत दस्तावेज जावून फुडल्या काळांत उपयोगाक पडटली. जांकां फेस्तांच्या संदर्भांत जाणविकाय ना तांकां ताची जाण मेळटली. "Social Networks represent the digital reflection of what humans do : we connect and share".[4] फेस्तांच्या संदर्भांत आशिल्ली म्हायती जरी सोशल मिडियाच्या आदारान चडांत चड गोंयच्या भायल्या लोकांक मेळ्ळी जाल्यार, "फेस्तां" हीं गोंयचें संस्कृतीक दायज आशिल्ल्यान तीं "ट्युरीस्ट अट्रेक्शन" जावंक शकता.

कांय फेस्तां मनोवपाचे पद्दतींत बदल जाल्लो आमकां दिसता. हो बदल जावपाची कारणां आनी हो बदल कितल्या प्रमाणांत जाला हाचोय विचार करून ताचो तुलनात्मक अभ्यास प्रबंधिकेंत जाला. तेच प्रमाण फेस्तां संबंदीत जी विशिश्ट उतरावळ आसा ताचेंय संकलन ह्या प्रबंधिकेवरवीं जाला.

## 1.3 अभ्यास पद्दत

Research is defined as a careful consideration of study regarding a particular concern or a problem using scientific methods.[5]

संशोधन करतना विशया प्रमाण वेगवेगळ्या पद्दतींचो वापर करून त्या संशोधनाचो वावर पुराय जाता. ह्या प्रबंधिके खातीर म्हायती एकठांय करपाक मुखेलपणान सर्वेक्षण पद्दतीचो वापर जाला. ह्या पद्दतीच्या आदारान वेगवेगळ्या लोकां कडेन साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तां विशी म्हायती मेळ्ळी. **सर्वेक्षण पद्दतीच्या** आदारान एकठांय केल्ल्या म्हायतीचें लेखन करपा खातीर **वर्णात्मक पद्दतीचोय** वापर जालो. प्रबंधिकेचो शिर्शक **“साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक अभ्यास”** आशिल्ल्यान फेस्तांचो समाजीक आनी संस्कृतीक अभ्यास करपा खातीर **समाजशास्त्रीय पद्दतीचोय** आदार जालो. संस्कृतीक नदरेन फेस्तांचो अभ्यास करतना आदल्या काळार फेस्तां मनोवपाची पद्दत आनी आतांच्या काळार फेस्तां मनोवपाची पद्दत हांची तुळा **तुलनात्मक पद्दतींतल्यान** जाल्या. **सर्वेक्षण पद्दत**, **वर्णात्मक पद्दत**, **समाजशास्त्रीय पद्दत** आनी **तुलनात्मक पद्दत** हांचो आसपाव हे प्रबंधिकेंत अभ्यास करतना जालो.

## 1.4 विशय प्रवेश


हो विशय तडीक व्हरपाक जायते तरेची अभ्यासणी करून ताची सकयल दिल्ले प्रमाण मांडणी केल्या.

प्रस्तूत सोदवावरची संक्षिप्त रूपरेखा

पयलो अध्याय → प्रस्तावना आनी विशय प्रवेश

दुसरो अध्याय → साश्टी वाठार आनी ह्या वाठारांतल्या फिर्गजेची फेस्तां

तिसरो अध्याय → क्रिस्ती धर्मांतल्या फेस्तांची सुपुल्ली वळख




**संदर्भवळेरी :-**

1) https://youtu.be/ctBRaOJTj3Q?si=4h1VT0XAExoIG9BW
2) https://en.m.wikipedia.org/wiki/Christianization_of_Goa#:~:text=The%20indigenous%20population%20of%20the,Goa%20Inquisition%20from%201560%20onwards.
3) Rodrigues, Maria. Feasts, festivals and observances of Goa. L&L Publications, Merces Tiswadi, 2004,84
4) https://images.app.goo.gl/bcmy3uLBgyMbh1Sr8
5) https://images.app.goo.gl/9bP7r1j1g2Vsj2EL7

# दुसरो अध्याय

## 2. साश्टी वाठार आनी ह्या वाठारांतल्या फिर्गजेची फेस्तां

2.1 साश्टी वाठाराची भुगोलीक आनी इतिहासीक वळख

2.2 साश्टी वाठाराची समाजीक आनी संस्कृतीक वळख

2.3 साश्टी वाठारांतल्या फिर्गजेच्या फेस्तांचो तकटो

**2. साश्टी वाठार आनी ह्या वाठारांतल्या फिर्गजेची फेस्तां :-**

गोंयांत सगळे मेळून 12 तालुक्ये आसात. देखीक : पेडणें, बार्देझ, बिचोलिम, सत्तरी, तिसवाडी, फोंडा, मुर्मूगांव, साश्टी, सांगें, केपें, धरबंडोरा आनी काणकोण. हातूंतलोच एक संस्कृतीक म्हत्व आशिल्लो तालुक्यो म्हणल्यार 'साश्टी' तालुका. प्रस्तूत अध्यायांत साश्टी वाठाराची वळख करून दिल्ली आसा. ही वळख करतना साश्टी वाठाराची भुगोलीक आनी इतिहासीक वळख तशेंच समाजीक आनी संस्कृतीक वळख हातूंत जाल्ली आसा. ह्या वाठारांत आशिल्ल्यो वेगवेगळ्यो 'इगर्जी' आनी त्या इगर्जांनी मनयिल्लीं 'मुखेल फेस्तां' हाची म्हायती ह्या अध्यायांत तक्टयाच्या रूपान दिल्ली आसा.

**2.1 साश्टी वाठाराची भुगोलीक आनी इतिहासीक वळख :-**

साश्ट हो भारतांतल्या गोंय राज्यांतल्या दक्षीण गोंय जिल्ल्यांतलो एक तालुक्यो. साश्टी तालुका दक्षीण गोंयच्या उत्तर भागांत आसून अरबी दर्याचे दर्यादेगेच्या सरळ वयर अखंड दर्यादेगेच्या पट्टेच्या सुमार 20 मैलांचेर उतोर्दा दर्यावेळेच्या रिसॉर्टसावन सुरू जावन दक्षिणेक साल न्हंयच्या तोंडार बेतुल दर्यावेळेर सोंपता. गोंयच्या वाठारांत रावपी सरस्वत ब्राहमणांचो पयलो पंगड साश्टी तालुक्याच्या आठ गांवांनी रावपाक लागलो म्हणून तांकां "साश्टीकार" अशें म्हण्टाले.[1] साश्टी हो भारताचे अस्तंत दर्यादेगेर गोंय राज्यांतल्या दक्षीण गोंय जिल्ह्याचो एक उपविभाग. इतिहासीक नदरेन जुंवारी न्हंयचे दक्षिणेक आशिल्ल्या सासठ

वसणुकांनी मूळ साल्सेट / साश्टी तालुक्यो तयार केलो. ताचें प्रशासकीय मुखेल कार्यालय मडगांव आसा. थळाव्या लोकांच्या प्रमाण हो वाठार सासश्ठ गांवांनी तयार जाल्लो आशिल्ल्यान ताका साश्टी हें नांव पडलां. साश्टी तालुक्यांत णव कोमुनिदाद वा गांव सरकारी संस्था आसात त्यो म्हणल्यार बाणावली, बेतालबाती, कोलवा, कुडतरी, लोटले, मडगांव, नुवें, राय आनी वेर्णा.[2] साश्टी तालुक्याच्या उदेंतेक सांगें तालुका, अस्तंतेक अरबी दर्या, उत्तरेक तिसवाडी आनी फोंडा तालुक्यो आनी दक्षिणेक काणकोण आनी केपें तालुका आसात. दक्षीण गोंय जिल्ल्यांतल्या पांच तालुक्यांतलो हो एक तालुका. साश्टी तालुक्यांत 35 गांव आनी 13 शारां (town) आसात.[3] गोंयांत मूळ वसणूक करपी भूंयमार्गान आयिल्ले दक्षीण कोंकण दर्यादेगांतले आनी छोटा नागपूर वाठारांतले चार - पांच जमाती आशिल्ल्यो. उपरांत दर्याच्या मार्गार भोंवपी आनी साश्टीच्या आठ गांवांनी म्हणल्यार मडगांव, वेर्णा, बाणावली, कुडतरी, राय, लोटले, सांकवाळे आनी नागोआ हांगा रावपी भारत-आर्य आशिल्ले, अशें लेखक आनी आदले पत्रकार वाल्मिकी फालेरो सांगतात.[4] ह्या वसणूक केल्ल्या कुटुंबांची संख्या 96 आशिल्ली. तातूंतली 66 कुटुंबां साश्टींत उरले, देखून हाका साश्ट अशें म्हणटात.

## 2.2 साश्टी वाठाराची समाजीक आनी संस्कृतीक वळख

साश्टी वाठारांत रावपी लोकसंख्येंत धार्मीक, जातीच्या वा कलेच्या नदरेन वेगवेगळ्या समाजाचे लोक आमकां मेळटात. भारताचे जनगणने प्रमाण

2011 वर्सा साश्टी तालुक्यांत 71717 घरां आसात, लोकसंख्या 294464 आसून तातूंत 145448 दादले आनी 149016 बायलो आसात. 0 - 6 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यांची लोकसंख्या 30208 आसा. सुमार 71,717 कुटुंबां साश्टींत रावतालीं. तशेंच जनगणने प्रमाण साश्टींतल्या पुराय लोकसंख्येंतले 72.2% लोक शारांनी रावतात जाल्यार 27.8% लोक गांवगिऱ्या वाठारांनी रावतात. शारांनी 89.6% जाल्यार गांवगिऱ्या वाठारांनी 88.8% लोक शिक्षीत आसात. तशेंच साश्टी तालुक्यांतल्या शारी वाठारांचें लिंग प्रमाण 99.8% जाल्यार गांवगिऱ्या वाठारांचें लिंग प्रमाण १,०९७ आसा.[5]

**साश्टींतली जातीप्रमाण लोकसंख्या :-**

साश्टींत वेगवेगळ्या जातीचे लोक आमकां मेळटात. देखीक : ब्राहमण, क्षत्रिय, शुद्र, म्हार, धनगर आदी. हातूंतल्या कांय जातींक श्रेश्ठ मानतात जाल्यार कांय जातींक उणाक समजतात. चड करून आर्थीक नदरेंतल्यान हो भेद-भाव आमकां गोंयांतूच न्हय जाल्यार पुराय भारतांत जाल्लो दिश्टी पडटा. भारताचे जनगणने प्रमाण 2011 वर्सा साश्टी तालुक्यांतल्यांत SC लोकांची लोकसंख्या 1.2% जाल्यार ST लोकांची लोकसंख्या 11.1% आशिल्ली.[6]

**साश्टी तालुक्यांत धर्माप्रमाण लोकसंख्या :-**

हिंदू-34.61%, मुसलमान-11.38%, क्रिस्तांव-53.57%, शीख-0.06%, बौध्द धर्म-0.09%, जैन-0.13%, दुसरे धर्म-0.01%, धर्म स्पश्ट नाशिल्ले लोक-0.14%.[7]

संस्कृतीक नदरेन नियाळ केल्यार साश्टी वाठारांत मनयिल्ल्यो सण-परबो, इंत्रूज आनी खास करून फेस्तांचो उल्लेख केल्या शिवाय साश्टीकार रावचो ना. साश्टीकार तियात्र तशेंच खेळ-तियात्राचो मोगी जावन आसा. तियात्राक वा खेळ तियात्राक चड प्रमाणांत साश्टीकारांचो प्रतिसाद मेळटा. लग्ना वा काजाराच्या वेळार जावपी वेगवेगळ्यो विधी संस्कृतीक म्हत्वाच्यो आसात. ह्या वाठारांतले वेगवेगळे पारंपारीक वेवसाय जशे शेती वेवसाय, नुस्त्याचो वेवसाय आदी संस्कृतायेचो भाग जावन आसा. साश्टी वाठारांत चड लोकप्रीय आशिल्लीं आकर्शणां जांचो उल्लेख करूं येता तीं म्हणल्यार : गोंयचें पूर्वज वंशशास्त्रीय संग्रहालय, चंद्रेश्वर देवूळ, पोवित्र आत्म्याची इगर्ज, पांडवा केव्स, राशोल सेमिनरी, विंटेज कार म्युझियम, गोवा चित्रा म्युझियम, चांदोर शारांतलीं पोरणीं घरां आदी. पर्यटकांक चड आकर्शक आशिल्ल्यो कांय नामनेच्यो दर्यावेळो दक्षीण गोंयच्या ह्या साश्टी वाठारांत आसात. देखीक : कोल्वा दर्यावेळ, माजोर्डा दर्यावेळ, वार्का दर्यावेळ, काव्हेलोसिम-मोबोर दर्यावेळ आदी. डिसेंबराच्या म्हयन्यांत चड प्रमाणांत पर्यटक गोंयांत येतात आनी ह्या म्हयन्यांत नातालां मनयिल्ल्यान इगर्जे कडेन केल्ले व्हडले व्हडले गोठे पळोवपाक

पर्यटक येतात. ह्या वेळार इगर्जे कडेन संस्कृतीक कार्यक्रम घडोवन हाडटात.

## 2.3 साश्टी वाठारांतल्या फिर्गजेच्या फेस्तांचो तकटो :-

साश्टी वाठारांत व्हडा उमेदीन क्रिस्तांव लोक फेस्तां मनयतात. हीं फेस्तां इगर्जेंत, कोपेलांनी वा खुर्सा कडेन मनयतात. साश्टी वाठारांतल्यान प्रत्येक फिर्गजेंत एक मुखेल फेस्त मनयतात आनी चडशें हें फेस्त त्या फिर्गजेच्या पात्रोनाचें (Patron) जावन आसता. फिर्गज वा पॅरिश म्हणल्यार गांव वा शाराचो एक भाग, जांची स्वताची इगर्ज आनी त्या इगर्जेंत लोकांच्या बरेपणा खातीर वावुरपी पाद्री आसता. बिशपान पॅरिशांचे भुगोलीक सुवाते प्रमाण डायोसीजीच्या प्रादेशिक वाठारांनी केल्ल्या गटांक 'डिनरी' (Deanery) अशें म्हण्टात. साश्टी वाठारांत सगळ्यो मेळून पांच 'डिनरी' आसात. ह्या 'डिनरी' भितर उपरांत वेगवेगळ्यो फिर्गज्यो आसात.

देखीक :-

| डिनरी | फिर्गज | फिर्गजेचें फेस्त | गांव/शार |
|---|---|---|---|
| बाणावली | पोवित्र त्रित्वेची फिर्गज | पोवित्र त्रित्वेचें फेस्त | बाणावली |
| | सांत जुआंव बाप्तिस्ताची फिर्गज | सांत जुआंव बाप्तिस्ताचें फेस्त | बाणावली |
| | रेमेत सायबिणीची फिर्गज | रेमेत सायबिणीचें फेस्त | बेतालबाती |
| | सुकोर सायबिणीची फिर्गज | सुकोर सायबिणीचें फेस्त | कार्मोना |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | पवित्र खुर्साची फिर्गज | पवित्र खुर्साचें फेस्त | कावेलोसी |
| | मेरसेस सायबिणीची फिर्गज | मिनीन जेझूचें फाम | कोलवा |
| | सांत मिंगेलाची फिर्गज | सांत मिंगेलाचें फेस्त | ओरली |
| | पिलार सायबिणीची फिर्गज | पिलार सायबिणीचें फेस्त, सांत सेबास्तियांवाचें फेस्त | सुराले |
| | मोयमेवोंत सायबिणीची फिर्गज | मोयमेवोंत सायबिणीचें फेस्त | वार्का |
| | | | |
| चिंचोणें | मार्तीरांचे सायबिणीची फिर्गज | मार्तीरांचे सायबिणीचें फेस्त | आसोलना |
| | भागिवोंत आंकवार मारिया निशकोलोंक गोर्भसोंभोवणेचे सायबिणीची फिर्गज | भागिवोंत आंकवार मारिया निशकोलोंक गोर्भसोंभोवणेचे सायबिणीचें फेस्त | बेतूल |
| | सांत आंतोनिची फिर्गज | सांत आंतोनिचें फेस्त | काबो दे रामा |
| | सांत सेबास्तियांवाची फिर्गज | सांत सेबास्तियांवाचें फेस्त | कानागिनी |
| | भोरवोंशाचे सायबिणीची फिर्गज | भोरवोंशाचे सायबिणीचें फेस्त | चिंचोणें |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | फातीम सायबिणीची फिर्गज | फातीम सायबिणीचें फेस्त | कोटा दे फातोरपा |
| | भोलायकेचे सायबिणीची फिर्गज | भोलायकेचे सायबिणीचें फेस्त | कुंकोळी |
| | सांत जुझेची फिर्गज | सांत जुझेचें फेस्त | द्रामापूर |
| | आसूम्प्त सायबिणीची फिर्गज | आसूम्प्त सायबिणीचें फेस्त | सारजोरा |
| | सांत रोकाची फिर्गज | सांत रोकाचें फेस्त | तोलेकांतो |
| | सांत फ्रांसिस शाव्हिएराची फिर्गज | सांत फ्रांसिस शाव्हिएराचें फेस्त | वेळ्ळे |
| | सांत आंतोनिची फिर्गज | सांत आंतोनिचें फेस्त | वेरोडा |
| | | | |
| राया | लिवरामेंत सायबिणीची फिर्गज | लिवरामेंत सायबिणीचें फेस्त | आर्लेम |
| | कानदेलारिया सायबिणीची फिर्गज | कानदेलारिया सायबिणीचें फेस्त | कामुर्ली दे साल्सेट |
| | सांत आलेक्साची फिर्गज | सांत आलेक्साचें फेस्त, ग्वादालूप सायबिणीचें फेस्त | कुडतरी |
| | सेवियर ऑफ द वर्ल्ड फिर्गज | सेवियर ऑफ द वर्ल्ड जेझूचें फेस्त | लोटले |
| | कासियेच्या सांत रिताची फिर्गज | कासियेच्या सांत रिताचें फेस्त | मायणा कुडतरी |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | नेवीस सायबिणीची फिर्गज | नेवीस सायबिणीचें फेस्त | राय आनी रायतूर |
| | | | |
| मडगांव | सांत सेबास्तियांवाची फिर्गज | सांत सेबास्तियांवाचें फेस्त | आर्के |
| | रूजाय सायबिणीची फिर्गज | रूजाय सायबिणीचें फेस्त | दिकरपाली |
| | फातीम सायबिणीची फिर्गज | फातीम सायबिणीचें फेस्त | फातोर्डा |
| | पोवित्र आत्म्याची फिर्गज | पोवित्र आत्म्याचें फेस्त | मडगांव |
| | कुर्पेच्या सायबिणीची फिर्गज | कुर्पेच्या सायबिणीचें फेस्त | मडगांव |
| | रूजाय सायबिणीची फिर्गज | रूजाय सायबिणीचें फेस्त | नावेली |
| | | | |
| वेर्णा | सांत थॉमासाची फिर्गज | सांत थॉमासाचें फेस्त | कांसाले |
| | लिवरा फेब्रीस सायबिणीची फिर्गज | लिवरा फेब्रीस सायबिणीचें फेस्त | कोणसुआ |
| | देवा मातेची फिर्गज | देवा मातेचें फेस्त | माजोर्डा |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | सुकोर सायबिणीची फिर्गज | सुकोर सायबिणीचें फेस्त, पियेदाद सायबिणीचें फेस्त | नागवा दे वेरणा |
| | जेझू, मारी आनी जुझेची फिर्गज | माये दे पोब्रीस सायबिणीचें फेस्त | नुवें |
| | पिडेस्तांचे सायबिणीची फिर्गज | पिडेस्ताचे सायबिणीचें फेस्त | कावेलोसी |
| | लुर्डस सायबिणीची फिर्गजे | लुर्डस सायबिणीचें फेस्त | उतोर्डा |
| | आसूम्प्त सायबिणीची फिर्गज | आसूम्प्त सायबिणीचें फेस्त | वेल्सांव |
| | पोवित्र खुर्साची फिर्गज | पोवित्र खुर्साचें फेस्त | वेरना |

(वयर दिल्ली म्हायती डिरेक्ट्री 2021 – 2022 ह्या पुस्तकांतल्यान घेतल्या)[8]

## संदर्भवळेरी :-


1) https://www.vibrantgoa.com/history-of-goa/
2) https://en.m.wikipedia.org/wiki/Salcete#:~:text=Salcete%20taluka%20comprises%20nine%20comunidades,the%202011%20Census%20of%20India
3) वयलोच संदर्भ
4) https://timesofindia.indiatimes.com/city/goa/the-true-soul-of-goas-south/articleshow/45589608.cms
5) https://www.censusindia.co.in/states/goa
6) वयलोच संदर्भ
7) आदलोच संदर्भ, https://www.censusindia.co.in/states/goa
8) Cardozo, Fr. Barry. *Directory 2021-2022.* Diocesan centre for social communications media, Altinho panjim, 2021.

# तिसरो अध्याय

## 3. क्रिस्ती धर्मांतल्या फेस्तांची सुपुल्ली वळख

3.1 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक जेझूचीं फेस्तां

3.2 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक सायबिणीचीं फेस्तां

3.3 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक सांताचीं फेस्तां

3.4 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक खुर्साचीं फेस्तां

## 3. क्रिस्ती धर्मांतल्या फेस्तांची सुपुल्ली वळख :-

क्रिस्ती धर्मांत जीं फेस्तां मनयतात तांची विभागणी चार तरेन करूंक येता. देखीक : जेझूची फेस्तां, सायबिणीचीं फेस्तां, सांताचीं फेस्तां आनी खुर्साची फेस्तां. प्रस्तूत अध्यायांत जेझूच्या संदर्भांत मनयिल्लीं कांय फेस्तां देखीक : नाताळ, निमाणो बिरेस्तार, क्रिस्त राजाचें फेस्त आदी हांचो आसपाव जाला. सायबिणीच्या फेस्तांचो नियाळ करतना तिची कांय नामनेची प्रकटीकरण हांचीय म्हायती दिल्ली आसा. क्रिस्ती धर्मांत असंख्य संत आसात. प्रत्येक सांताचें जिवीत देख दिवपासारकें आसा. ह्या सांताचीं फेस्तां मनोवपाची कांय कारणां ह्या अध्यायांत मांडल्यात. तशेंच पवित्र खुर्साच्या फेस्तांच्या संबंधीत आशिल्ल्या कांय म्हत्वाच्या मुद्द्यांचेरूय चर्चा केल्ली आसा.

### 3.1 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक जेझूचीं फेस्तां

कॅथलिक इगर्जेतल्या जेझूचो इतिहास बेथलेहेम हांगा ताचो जल्म, ताची सेवा, मरण आनी पुनर्जल्म हांचे पासून सुरू जाता. तातूंत सुरवेच्या क्रिस्तांव समाजाची स्थापणूक आनी संवसारभर क्रिस्तांव धर्माचो प्रसार करपाचोय आस्पाव जाता. क्रिस्ती धर्मांत जीं फेस्तां जेझूच्या संबंदीत आसात तांचो उल्लेख जेझू क्रिस्ताची फेस्तां म्हण जाता. देखीक :-

**नाताळ :-**

25 डिसेंबराक नाताळ मनयतात. हें नाताळ जेझू क्रिस्ताच्या जल्माचो उगडास करता. ह्या दिसा मध्यान रातचें मिस जाता. मिसाची सुरवात जावचे आदीं ‘कॅरोल’ गायन तशेंच जेझूच्या जल्माचो देखावो लोकां मुखार सादर जाता. भेटवस्तू दिवप - घेवप जाता.

**तीन रायांचें फेस्त :-**

6 जानेवारीक वा 2 ते 8 जानेवारी मदल्या आयतारा दिसा हें फेस्त मनयतात. ‘एपिफेनी’ म्हणल्यार जेझूक तीन विधवान मनीस भोजूंक पयस देसांतल्यान येतात आनी जेझू सोडवणदार म्हूण प्रगट जाता. ह्या फेस्ताचो संबंद बाळक जेझूक भेट दिवपाकडेन आसता. ह्या फेस्ता उपरांत नाताळाचो काळ सोंपता.

**निमाणो बिरेस्तार :-**

हाका ‘मौंडी थजडे’ अशेंय म्हण्टात. ही परब जेझू क्रिस्तान ‘आपोसलां’ (Apostles) वांगडा केल्ल्या निमाण्या जेवणाचो उगडास करता. ही परब मिसाची आनी पाद्रीपणाची सुरवात स्थापीत करता. ‘जेझूच्या जेवणाचें’ मिस जाता आनी कॅथलिक इगर्जी जेझूच्या नम्रतेच्या कृतीचो उगडास करून पांय धुवपांत वांटो घेतात.

**पवित्र सातोळें :-**

ह्या तीन दिसांच्या काळांत निमाणो बिरेस्तार, निमाणो शुक्रार (गुड फ्रायडे) आनी पवित्र शेनवार हांचो आसपाव जाता. जेझू क्रिस्ताच्या त्रासाचो, मरणाचो आनी पुनर्जल्माचो उगडास ह्या दिसांनी करतात. पवित्र शेनवारा राती जावपी जागरणांत हो जेझूच्या पुनर्जल्माचो सुवाळो जाता आनी हो वर्साचो सगळ्यांत म्हत्वाचो लितुर्जीक (liturgical) उत्सव मानतात.

**क्रिस्त राजाचें फेस्त :-**

क्रिस्ती धर्मांत एक 'लिटर्जिकल कॅलेंडर' आसा. हातूंत जेझूच्या जल्मा सावन ते पुनर्जल्मा मेरेन जे म्हत्वाचे सण आसात तांची विभागणी वेगवेगळ्या काळांत केल्ली आसा देखीक :- सादो काळ, आदवेंताचो काळ, प्राचीत काळ, पास्कांचो काळ आदी. आदवेंताचो काळ / अॅडव्हेंट काळ सुरू जांवचे पयलीं क्रिस्त राजाची परब मनयतात. जेझू सर्गाचो आनी धर्तरेचो राजा अशें मानून ह्या परबेचें मनोवप जाता.

**जेझूची सर्गार चडण्याची परब :-**

ही परब इस्टर आयतारा उपरांत 40 दिसांनी मनयतात जी जेझूच्या सर्गार चडपाचो उगडास करता. तशेंच ही परब ताचें पृथ्वीवयलें मिसांव पुराय जावप आनी ताच्या पुनर्जल्मा विशीं सांगता.

**डिवाइन मर्सी फेस्त / देव काकुतीची परब :-**

हो उत्सव जेझूच्या जिवितांतले म्हत्वाचे खीण आसून कॅथलिक इगर्जेंत आदर आनी खोशेन पाळटात.

**3.2 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक सायबिणीचीं फेस्तां**

कॅथलिक इगर्जेंतल्या मारियेचो इतिहास जेझूची आवय म्हूण तिची भुमिका आनी क्रिस्तांव धर्मशास्त्रांत आनी भक्तींत तिचें म्हत्व हांचे भोंवतणी घुंवता. कॅथलिक इगर्ज मारियेक व्हड मान दिता आनी तिका "देवाची आवय" वा "थिओटोकोस" अशें म्हणटा. सायबिणीचीं कांय मुखेल फेस्तां आसात जीं खूब म्हत्वाचीं आसात. देखीक :-

**इमॅक्युलेट कॉन्सेपशन :-**

ही परब 8 डिसेंबराक मनयतात. मारियेची मूळ पातक नासतना गर्भधारणा जाली असो समज आसा. तातूंत जेझूची आवय म्हूण तिची खाशेली भुमिका आनी देवा कडेन तिचो खाशेलो संबंद हाचेर भर दिला. ही परब सगळ्या इगर्जांनी 8 तारखेर मनयतात.

**मारिया देवाची माता :-**

हें फेस्त जेझूचो जल्म जाल्या उपरांत एका सुमानांत म्हणल्यार जानेवारीच्या 1 तारखेक  मनयतात. जेझू क्रिस्ताक व्हड मान आसा तशेंच जेझू क्रिस्ताक जल्म दिल्ल्या आवयक म्हणल्यार सायबिणीक

लेगीत खूब मान आसा. जेझूक ह्या संवसारांत हाडपाक खूब त्रास कश्ट तिणें मोन्यांनी सोंसले. इतले त्रास आनी कश्ट आसून सुद्दां तिणें देवाचेर भावार्थ दवरलो आनी देवाच्या येवजणेचेर पातयेवन ती आपलें जिवीत जियेली. जेझूक जल्म दिवपाक खंयचीय सुवात ना ती पळोवन एका गोरवांच्या गोठ्यांत तिणें ताका जल्म दिलो. मनशाच्या सोडवोणे खातीर मारियेन देवाची खोशी मानून देवाच्या पुताक जल्म दिलो.

**सायबिणीचें सर्गार चडण्याचें फेस्त :-**

हें फेस्त ऑगस्टाच्या 15 तारखेर मनयतात. मारिया पातका विणें ह्या संवसारांत जियेली. तिच्या ह्या जिविताचो इनाम म्हण देव तिका कुडी-आत्मया सयत सर्गार व्हरता आनी तिका सर्गार आनी संवसाराची राणी म्हण हें सौभाग्य फावो करता. पुनर्जल्माची पूर्णताय आनी सासणाचें जिवीत अणभवपी पयली व्यक्ती म्हूण तिका वळखता.

**सायबिणीची जल्माची परब :-**

सप्टेंबराचे 8 तारखेक क्रिस्ती लोक व्हडा दबाज्यान सायबीणीची जल्माची परब करतात. 9 दीस नोवेना केल्या उपरांत धाव्या दिसा ही परब जाता. ह्या दिसा सगळ्या आवयांचो दीस मनयतात. सायबीण ही सगळ्या आवयां खातीर एक देख जावन आसा. ती ज्या तरेन आपलें जिवीत जियेली त्या तरेन हेर आवयांनी तिचे कडेन स्फूर्त घेवंक नोवेनाच्या दिसांनी ह्या विशयाचेर नियाळ जाता. देव संवसारांत प्रवेश करून

मनशाच्या सोडवणेची येवजण सुरू करूंक वेंचून काडिल्लें पात्र म्हणून सायबिणीची भुमिका याद करतात.

**अनाउनसिएशन :-**

ही परब 25 मार्चाक मनयतात. जेन्ना गॅब्रिएल देवदूतान मरियेक पवित्र आत्म्या वरवीं जेझूक गर्बेस्त जातली अशें जाहीर केल्ल्या खिणाचो उगडास ह्या परबेंत करतात. हातूंतल्यान मनशाच्या सोडवणेच्या काणयेंत मारियेची भुमिका सुरू जाता.

**देव तेंपलांत सायबिणीची भेटवणी :-**

ही परब 21 नोव्हेंबराक मनयतात. ही परब मारियेची आवय-बापूय म्हणल्यार सांत जोकीं आनी एन हांणी ल्हान पिरायेचेर तिका देव तेंपलांत भेटयिल्ली त्या परंपरेचो उगडास करून दिता. तातूंत मरियेच्या समर्पणाचेर आनी देवा कडेन आशिल्ल्या भक्तीचेर भर दिला.

**व्हिजीटेशन ऑफ मेरी :-**

ही परब 31 मे ह्या दिसा मनयतात. मारीया आपल्या मावशे भयणीक म्हणल्यार 'एलिझाबेथ' हिका भेट दिल्ल्याचो उगडास करतात. एलिझाबेथ गुरवार आशिल्ल्यान मारीया तिका भेट दिता, हातूंत मरियेची भुमिका आनी हेरांक आदार दिवपाची तिची तयारी हाचेर भर दिला.

इतिहासांतल्यान जेझूची आवय मारिया जायत्या व्यक्तींक दिसून आयिल्ल्याचे जायते सुवाळे आसात. सायबीण माय संवसाराच्या वेगवेगळ्या भागांनी लोकांक दिश्टी पडली आनी ते प्रमाण तिका वेगवेगळीं नांवां पडलीं. देखीक :- वेलंकनी सायबीण, लुर्डस सायबीण, कार्म सायबीण. आयज मेरेन त्या जाग्यांनी सायबिणीची परब व्हडा दबाज्यान मनयतात. कांय चड नामनेची आनी मान्य आशिल्ली प्रकटीकरण आसात. देखीक :

**ग्वादालूप सायबिणीचें फेस्त (1531, मेक्सिको) :-**

हें एक नामनेचें आनी मान्यताय मेळिल्लें मॅरियन प्रकटीकरण. आख्यायिके प्रमाण मेरी जुआंव डिएगो नांवाच्या गरीब मनशाक सायबीण दिसली आनी ताच्या वस्त्राचेर तिणें आपली प्रतिमा सोडली.[1] तिच्या रुपाक लागून लाखांनी देशी लोक क्रिस्तांव धर्मांत रुपांतरीत जाले.

**फातिमा सायबिणीचें फेस्त (1917 पुर्तुगाल) :-**

मे म्हयन्याच्या 13 तारकेर सायबीण मांय पुर्तुगालच्या 'फातिमा' ह्या ल्हान गांवांत शेळयो राखपी तीन भुरग्यांक दिश्टी पडली. त्या भुरग्यांचीं नांवां :- लुसी, फ्रांसिस्को आनी जसिंता.[2] 13 मे 1917 ते 13 ऑक्टोबर 1918 सायबीण मांय 6 फावट ह्या भुरग्यांक दिश्टी पडली. पातकी मनशांच्या सडवणे खातीर मारीया तांकां तेर्साचें मागणें करपाक सांगता. ऑक्टोबराच्या पुराय म्हयन्यांत क्रिस्ती लोक खुरसाकडेन वा

सायबिणीच्या ग्रोटो लागीं तेर्सांचें मागणें करतात. ह्या दिसा जायत्या इगर्जांनी सायबिणीची घरा-घरांनी भेट सुरू जाता.

**लुर्डस सायबिणीचें फेस्त (1858 फ्रांस) :-**

1858 वर्सा सेंट बर्नाडेट सौबिरोस हे चवदा वर्सां पिरायेचे शेतकार चलयेक फ्रांसांतल्या लुर्डस हांगाच्या ग्रोटोंत सायबीण मांय दिश्टी पडली. तिणें बर्नाडेटाक लागसारच्या जमनींत खणपाची सुचोवणी दिली आनी तातूंतल्यान आयज मेरेन सक्रीय आशिल्लो दुवेंसांतलीं वा हेर पिडेंतलीं बरे करपी गूण आशिल्लो झरो आयलो.[3]

**वेलंकनी सायबिणीचें फेस्त :-**

वेलंकनी सायबिणीचें फेस्त सप्टेंबराचे 8 तारखेर मनयतात. सायबीण मांय बाळका जेझू सांगाता दूद विकपी एका ल्हान हिंदू भुरग्याक दिश्टी पडटा. ताच्या लागीं ती बाळका जेझू खातीर इल्लें दूद मागता. तो भुरगो तिका दूद दिता. सायबिणीक दूद दिल्या उपरांत त्या बुडकुल्यांतलें दूद कमी जायनासतना तो बुडकुलो भरिल्लो आशिल्लो. ही सायबिणीची एक मिलाग्र जावन आसा. त्या जाग्यार जंय सायबीण दिश्टी पडली ताका “माता कुलम” अशें म्हणटात.[4]

दुसरी वेलंकनी सायबिणीची व्हडांतली मिलाग्र म्हणल्यार कांय पोर्तुगेज वेपाऱ्यांक तिणें एका हिंसक वादळापसून सोडयले. वेपाऱ्यांक वैलंकनीच्या देगेर पावतकच थळाव्या नुस्तेकारान तांकां एका कॅपेलांत व्हेले.

सायबिणीचे उपकार मानपाक तांणी परत येवपाच्या प्रवासांत एक ल्हान कपेल बांदलें. उपरांतच्या भेटींनी तांणी तातूंत सुदारणां केलीं. वेपाऱ्यांनी 8 सप्टेंबराक तें कपेल सायबिणीक समर्पीत केलें, तिच्या जल्माची परब मनोवपा खातीर आनी तांच्या वैलंकनींत सुरक्षीत पाविल्ल्या खातीर आर्गां दिवपाक.[5]

## 3.3 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक संताचीं फेस्तां :-

कॅथलिक इगर्जेंतल्या संतांचे सण मनवप म्हणल्यार प्रामाणीकपणान आपलें जिवीत जियेल्ल्या दादल्यांक आनी बायलांक मान दिवपाक आनी भावार्थी लोकांचो भावार्थ खोलायेन वाडोवपाक, समुदायेचो एकचार, आध्यात्मीक वाड वाडोवपाक आनी देवाची कृपा तशेंच आशिर्वाद मेळोवपा खातीर संतांचीं फेस्तां मनोवप जाता. क्रिस्ती धर्मांतले कांय म्हत्वाचे सांत म्हणल्यार सांत मिंगेल, सांत क्रिस्टोफर, सांत आंतोन, सांत जुझे, सांत पेद्रू, सांत मोनिका, सांत तेरेज, सांत फाउस्तीन आदी. कॅथलिक इगर्जेंतल्या सांतांचें फेस्त मनोवपाचीं जायतीं म्हत्वाचीं कारणां आसात. देखीक[6] :-

**याद आनी प्रेरणा :**

सांतांचो उत्सव कॅथलिकांक आपलें जिवीत देवा कडेन समर्पीत केल्ल्या आनी गुणी जिवीत जगपी पवित्र दादले - बायलांचो मान आनी याद

करपाक मेळटा. हे सांत भावार्थी लोकांक भावार्थ, मोग आनी सेवा हांचें जिवीत जगपाक आदर्श आनी प्रेरणा दितात.

**इंतेसांव / मागणीं :**

आदर्श जिवीत जगून सांतांचो देवाकडेन लागींचो संबंद आसा अशें मानतात. कॅथलिक लोक आपलीं मागणीं वा गरजे खातीर आपलीं प्रार्थनां सांताकडेन करतात आनी तांच्या विनवणे वरवीं देव तांचीं मागणीं आयकतलो हाचो भावार्थ तांकां आसा.

**एकवट आनी सहभाग :**

सांतांच्या उत्सवा दिसांनी कॅथलिकांक एक समाज म्हूण एकठांय हाडून सांतांचो उत्सव मनयतात आनी तांची नोवेना करतात. समुदायीक प्रार्थनां, मिस आनी धर्मीक उत्सवाचो हो प्रसंग. हाका लागून भावार्थी लोकां मदीं एकचार आनी सहभागाची भावना वाडटा.

**सोडवणेच्या इतिहासाचो उगडास :**

जायत्या सांतांचें जिवीत इतिहासांतल्या मुखेल घडणुकांकडेन वा जेझूच्या आनी सुर्वेच्या इगर्जेच्या जिवितांतल्या म्हत्वाच्या खिणांकडेन संबंदीत आसतात. हे सण मनयतना कॅथलिक लोक वैयक्तीक सांतांक मान दिताच पूण इतिहासांतल्या देवाच्या सोडवणदार वावराचीय याद करतात आनी ताचेर चिंतन करतात.

**क्रिस्तांव अस्मिताय बळिश्ट करपाक :**

सांतांचो उत्सव कॅथलिक अस्मिताय बळिश्ट करपाक आदार करता, भावार्थी लोकांक व्यापक क्रिस्तांव परंपरे कडेन आनी इगर्जेच्या गिरेस्त आध्यात्मीक दायजाकडेन तांचो संबंद याद करून दिता. सांतांच्या जिविताचो उगडास करून कॅथलिक लोक आपल्या भावार्था विशीं आनी तांच्या शिकवणे विशीं आपले विचार खोलायेन वाडयतात.

**भक्ती आनी आध्यात्मीक वाड :**

सांतांची परब मनयल्यार कॅथलिक भावार्थी लोकांमदीं भक्ती वाडटा. तातूंत वैयक्तीक प्रार्थनां, आध्यात्मीक चिंतन आनी विशिश्ट सांतांकडेन संबंदीत आशिल्ल्या विशिश्ट भक्तींत वांटो घेवपाची संद मेळटा. अशा पद्दतींक लागून देवा कडेन आशिल्लो वैयक्तीक संबंद खोल जावंक शकता आनी आध्यात्मीक वाड जावंक शकता.

**3.4 क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक खुर्सांचीं फेस्तां**

पवित्र खुरीसाची परब, ही कॅथलिक इगर्जेंतली एक म्हत्वाची परब. दर वर्सा 14 सप्टेंबराक ती मनयतात. चवथ्या शेंकड्याचे सुरवेक कॉन्स्टंटाइनाची आवय संत हेलेना हिणें खऱ्या खुर्साचो सोद लायिल्ल्याचो उगडास ही परब करता. मे म्हयन्यांत लोक खुर्सांकडेन लादीन, तेर्स वा फेस्तां करतात.

पवित्र खुर्साच्या फेस्ता विशीं कांय मुखेल मुद्दे सकयल दिल्यात[7] :

**इतिहासीक फाटभूंय :**

चवथ्या शेंकड्यांत घडिल्ल्या घडणुकांनी ह्या फेस्ताची मुळां आसात. संत हेलेनान जेरुसलेमांत भोंवडी केली आनी जेझूक खुर्सार मारिल्ल्या खऱ्या खुर्साराचो सोद घेतलो. तिका तीन खुरीस मेळ्ळे आनी खंयचो खरो खुरीस हें थारावपाखातीर एका दुयेंत बायलेक दर एका खुर्साक हात लावपाक सांगलें. खऱ्या खुर्साक हात लायतना ती बायल चमत्कारीक रितीन बरी जाली.

**खुर्साचें म्हत्व :**

पवित्र खुरीस कॅथलिक लोकांखातीर व्हड म्हत्व दवरता, कारण तो तांच्या भावार्थाचें केंद्रीय प्रतीक दाखयता. जेझूच्या खुर्सार मरपाची आनी मनीसजातीच्या सोडवणे खातीर ताणें केल्ल्या बलिदानाची याद करून दिता. खुरीस हें मोगाचें आनी सोडवणेचें प्रतीक.

**मान आनी आदर :**

पवित्र खुर्साच्या उत्सवांत कॅथलिक लोक क्रिस्ताच्या बलिदानाक मान दिवपाचो आनी ताका आदर दिवपाचो एक मार्ग म्हणून खुर्साचो आदर करतात.

**फेस्ताचो दीस मनवप :**

संवसारभरांतल्या कॅथलिक इगर्जांनी पवित्र खुर्साची परब खाशेल्या मिसांनी आनी धर्मीक सेवांनी मनयतात. पातक आनी मरण हांचेर क्रिस्ताच्या जैताचेर भर दिवपी हो एक आनंदाचो प्रसंग. लितुर्जींत चड करून खुर्सार जैताचेर लक्ष केंद्रीत केल्लीं प्रार्थनां आसतात.

**परंपरा आनी भक्ती :**

जायत्या कॅथलिक लोकांची वैयक्तीक वा समुदायीक पद्दती पवित्र खुर्साच्या फेस्ताकडेन संबंदीत आसात. कांय जाण खुरीस गळ्याक घालतात वा खुर्साची वाट अशीं भक्तीचीं कृत्यां करतात.

**संदर्भवळेरी :-**


1) https://en.m.wikipedia.org/wiki/Our_Lady_of_Guadalupe
2) https://en.m.wikipedia.org/wiki/Our_Lady_of_F%C3%A1tima
3) https://ollsm.com/story-of lourdes#:~:text=Our%20Lady%20of%20Lourdes%20is,properties%2C%20active%20to%20this%20day.
4) https://vailankanni.info/apparitions-of-our-lady-of-health/
5) वयलोच संदर्भ
6) मुलाखत – फा. लेज्ली गोम्स
7) वयलोच संदर्भ

# चवथो अध्याय

## 4. साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांची धर्मीक आनी संस्कृतीक वळख

### 4.1 साश्टी वाठारांतलीं मुखेल सायबिणीचीं फेस्तां

4.1.1 कार्म सायबिणीचें फेस्त

4.1.2 रूजाय सायबिणीचें फेस्त

### 4.2 साश्टी वाठारांतलीं मुखेल संताचीं फेस्तां

4.2.1 सांत आंतोनिचें फेस्त

4.2.2 सांत जुझे वाझाचें फेस्त

4.2.3 सांत फ्रांसिस शाविएराचें फेस्त

4.2.4 सांत सेबास्तियांवाचें फेस्त

### 4.3 साश्टी वाठारांतलीं मुखेल खुरसाचीं फेस्तां

4.3.1 हांडी खुरसाचें फेस्त

4.3. 2 बाराडी खुरसाचें फेस्त

### 4.4 साश्टी वाठारांतलीं हेर मुखेल फेस्तां

4.4.1 पुरुमेंताचें फेस्त

4.4.2 कोणसांचें फेस्त

4.4.3 मिनींन जेझूचें फेस्त

4.4.4 तीन रायांचें फेस्त

4.4.5 सांजाव

4.4.6 केळ्यांचें फेस्त

4.4.7 पेरांचें फेस्त

### 4.1 साश्टी वाठारांतलीं मुखेल सायबिणीचीं फेस्तां :-

साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तां भितर वेग-वेगळ्या सांतांचीं, सायबिणीचीं, खुर्साचीं आनी जेझूचीं फेस्तां येतात. दर एक इगर्जेचो एक पात्रोन आसता हाका इग्लिशेंत 'पेट्रन' अशें म्हणटात. त्या पात्रोनाचें नांव त्या इगर्जेक दिल्लें आसता. देखीक : आकेंच्या इगर्जेचो 'सांत सेबास्तियांव' हो पात्रोन जावन आसा देखून त्या इगर्जेक सांत सेबास्तियांवाची इगर्ज अशें म्हणटात. सगळ्या इगर्जेच्या फेस्ताच्या समारंभाक सुरवात म्हण 'माडी' जाता. उपरांत णव दिसांचें नोवेन / तेरा दिसांचें त्रेजेन जाता आनी आखेरेक नोवेन / त्रेजेन सोंपल्या उपरांत फेस्त मनयतात. चडशा पात्रोनांचें एक खाशेलें मागणें, तेर्स वा गायोन आसता जें नोवेनाच्या / त्रेजेनाच्या वा फेस्ताच्या दिसा म्हणटात.

#### 4.1.1 कार्म सायबिणीचें फेस्त

सायबीण ही एकूच आसता पूण ती वेगवेगळ्या जाग्यांचेर दिश्टी पडिल्ल्या कारणान तिका वेगवेगळीं नांवां दिल्लीं आसात. देखीक :- सायबीण मांय कार्मेल दोंगरार दिश्टी पडिल्ल्या कारणान तिका कार्म सायबीण अशें म्हणटात. खंयच्याय सायबिणीच्या फेस्ताच्या नोवेनाक सायबिणीचो तेर्स म्हणटात. खंयचेय सायबिणीचें फेस्त जांव हो तेर्स सगळ्या सायबिणीच्या नोवेनाक एकूच आसता. तशेंच सायबिणीचें गायोन जें आसता तें एके सायबिणीचें खाशेलें गीत आसता वा एकूच सायबिणीचें गीत घेवून फेस्ता

प्रमाण गायोनांत तिचें नांव बदलप जाता. तशेंच थोड्या सायबिणीचें एक खेरीत मागणें आसता. कार्म सायबिणीचें फेस्त जुलायाचे 16 तारखेक मनयतात. कार्म सायबीण कार्मेलीतांची पात्रोन जावन आसा. साश्टी वाठारांत मडगांव शारांत एक कार्मेलीत कोवेंत (carmelite Monastery) आसा. हांगा हें फेस्त दबाज्यान मनयतात. कार्मेल दोंगराचेर कांय पाद्री मठांनी रावताले आनी एक भागिवंत जिवीत ते जियेताले. पूण लोक तांचीं फकाणां मारताले आनी तांकां त्रास करताले तेन्ना 'सायमन' जो ह्या पाद्रींचो मुखेली आशिल्लो ताणें सायबिणी लागीं मागलें आनी ती ताका दिश्टी पडली. धर्मीक वस्त्र म्हणून घालपी कपड्याचो ल्हानसो कुडको 'स्कॅपुलर' / 'बेतीन' हो सायबिणीण ताका दिलो.[1] ह्या स्कॅपुलराचो तिचे कडेन लागींचो संबंद आसा. स्कॅपुलर / बेतीन हें मनशाक सायबिणीच्या मार्गदर्शनाची आनी रक्षणाची याद करून दिता.

**कार्म सायबिणीचें मागणें :-**

"ऐ भोव भागिवोंत आनी खोत नासलोले आंकवारी, नेटोवून आनी पोरजोल कार्मेलाचो, तूं जी पोळेताय काकुतीच्या दोळ्यांनी, तुजें पोवित्र आंगोस्त्र न्हेसतोल्यांक, भोलेपोणीं आमकां सांबाळ आनी आमकां तुज्या आवोयपोणाच्या आदाराच्या मानतान पांगरोय, तुजे पोदवेन आमच्या ओसोकतायेक घोटाय दी, तुज्या जाणवायेन आमच्या गिन्यानाचो काळोख उजवाडाय, आमचे थांय भावार्थ, भोरवांसो आनी मोग वाडोय, आमचो ओत्मो इतल्या कुर्पेच्या देणयांनी आनी शेगुणांनी नेटोय की आमी सोदांच

मानवोन तुज्या देव-पुताक आनी तुका; तुज्या भोव मोगाच्या सांगातान दी आमकां आदार जियेताना आनी भुजवोन मोरताना; दाखोय आमकां भोव पोवित्र त्रितवेक. दिवूंक तुका ओनोद आनी पोरकोडूंक तुका वोयकुटान, सासणाच्या सासणाक. आमेन !"

**कार्म सायबिणीचें गायोन :-**

*कार्मेल दोंगरा वोयले सायबिणी*
*नोमान तुका शेरातिनी*
*सोर्ग सोंवसाराची तूं राणी*
*पावन कोर ही वाटसूरी जीण*

*देवा खुशेक खालती मान घालोय*
*सोडवोनडाराक सोंवसाराक दिलोय*
*सोरव कोश्ट सोंसून मोगान*
*मिसांव वावराक तोयार केलोय*

*कार्मेल दोंगरा वोयले सायबिणी*
*नोमान तुका शेरातिनी*
*सोर्ग सोंवसाराची तूं राणी*
*पावन कोर ही वाटसूरी जीण*

*रोक्षोण जालें कोश्टा दिसांनी*
*बेंतीन दिलें मोगा निशाणी*
*जो कोण मागून मागता कोश्टा भारांनी*
*मागून धाडटा देवीक देणीं*

*कार्मेल दोंगरा वोयले सायबिणी*
*नोमान तुका शेरातिनी*
*सोर्ग सोंवसाराची तूं राणी*
*पावन कोर ही वाटसूरी जीण* [2]

### 4.1.2 रूजाय सायबिणीचें फेस्त

रूजाय सायबिणीचें फेस्त नोव्हेंबर म्हयन्याच्या तिसऱ्या बुधवाराक, साश्टी वाठारांतल्या नावेली गांवांत मनयतात. ह्या सायबिणीक रूजाय सायबीण म्हणटात कारण रोजाराच्या कोंताकडेन तिचो संबंद वळखून दिल्लें हें नांव आसा. मागणें करताना वा तेर्स म्हणटाना हें कोंत क्रिस्तांव लोक वापरतात. खुरीस ही जेझूची खुणां जावन आसा तशेंच कोंत हें सायबिणीची खुणां जावन आसा.

**रूजाय सायबिणीचें मागणें :-**

“ऐ भोव पोवित्र आंकवारी, भोव पोवित्र त्रित्वेन तुका सुरवातेक थावन जेझूची आवोय जावूंक विंचून काडली. तुका देव पूत मोनीस जालो त्या घोडयेक आनी उपरांत तुका णोव म्हायने तुका तुज्या कुसव्यांत सांबाळ्ळो तेन्ना भोगलो तो सोंतोस हांव आतां नियाळटां. म्होज्या मागण्याच्या खोतखोत्यान हांव खोरेंच ही खुशालकाय आनी हो सांतोस चोडोवूंक आनी वाडोवूंक सोदतां. देवाची खुशी जाल्यार हांव ह्या नोवेनांत मागता ते उपकार म्हाका मेळोशे कोर ना तोर म्हाका गोरोज ती कृपा मागून घे

(थोडोसो वेळ वोगीच रावून मारियेचे विनोवणेन आमच्या गोरजो देवा फुड्यांत आमी दोवरूंया) ऐ देवाचे माये हें म्होजें नोमान तुका घाबरियल बोडव्यान केल्ल्या नोमाना सांगाती मानून घे. 'नोमान कृपेन भारलोले' हें म्होजें नोमान तुज्या वोयभोवाच्या मुकूटार धाकटीं-धाकटीं मोतयां जावं म्हूण हांव ओंतरेकता. ऐ सोंसतोल्याचे भुजवोणदारे देवाचो पूत मोनीस जालो तेन्ना तुका सोंतोस भोगलो हयाच सोंतोसान हांव मागतां तो उपकार मेळून दी. हया पासोत हांव सोगळ्या म्होज्यो तुज्या ओनोंदा खातीर केल्ल्यो बोऱ्यो कोरन्या तुका भेटोयतां. हांव तुजे कोडें खोतखोत्यान मागतां ज्या खातखोतयान तुजेंकाळीज जेझूच्या मोगान लासतालें. म्होजीं खालतीं मागणी आयकून घे आनी म्होजे मागलोले उपकार म्हाका मेळोय. आमेन !"[3]

**रूजाय सायबिणीचें गायोन :-**

*रूजारी सायबिणी, तूं आमची राणी*
*विसरोनाका गे आमची मागणीं*
*करपा दी आमकां दुकांनी रोडूंच्याक*
*आमचीं पातकां आमीं सोमेस्तांनीं*
*विनोती कोर माये तुज्या पुत्रा लागीं*
*आमी जोडूंच्याक सोरगींचीं देणीं.*[4]

### 4.2 साश्टी वाठारांतलीं मुखेल संताचीं फेस्तां :-

#### 4.2.1 सांत आंतोनीचें फेस्त

सांत आंतोनीचें फेस्त जुनाच्या 13 तारखेक मनयतात. सांत आंतोन सांडलेल्या वोस्तूंचो पात्रोन जावन आसा. ताचो जल्म 15 ऑगस्ट 1195 वर्सा लिजबन हांगा जालो.[5] वेग-वेगळ्या जाग्यांनी ताणें जेझूचें मिसांव फुडें व्हेलें. ताची प्रवचनां सगळ्या लोकांक आवडटालीं कारण तो जें कितें सांगतालो तें ज्ञानांन भरिल्लें आसतालें. पादुआ ह्या जाग्यार जेझूचो वावर करताना तो दुयेंत पडलो आनी ताका 13 जून 1231 वर्सा मरण आयलें. सादारणपणान खंयचेय सांताच्या वा सायबिणीच्या फेस्ता पयलीं णव दिसांचें नोवेन आनी धाव्या दिसा फेस्त आसता. पूण ह्या संताचें णव दिसाच्या नोवेनाच्या जाग्यार तेरा दिसांचें 'त्रेजेन' आसता.[6] ह्या संतान तेरा मिलाग्री केल्यो देखून ताचें तेरा दिसाचें त्रेजेन जाता असो समज आसा. जण एका संताची एक खाशेलताय आसा तशीच सांत आंतोनीच्या विनोवणेन सोयरीको जातात आनी सांडलोल्यो वोस्तू मेळटात हो भावार्थ आसा. त्रेजेनाच्या दिसांनी मिसाचे भेटे पयलीं सांत आंतोनीचो तेर्स, लादीन म्हणटात आनी मिसा उपरांत संताचें मागणें आनी गायोन म्हणप जाता. साश्टी वाठारांतल्या तोळ्याबांद आकें आनी देवसा चिंचोणें ह्या दोनूय जाग्यांचेर व्हडा दबाज्यान हें सांत आंतोनीचें फेस्त मनयतात.

**सांत आंतोनीचो तेर्स:-**

पोवित्र खुर्साची कुरु

सोतमांतां मागणें

आमचे बापा मागणें

*सांत आंतोन, ओचोऱ्यांचो मिलाग्रींचो (उचार)*

*काकूत कोर, पातकां भोगोस, मिनीन जेझू (जोबाब) [तीन फावटी]*

तेर्साच्या पांचूय खोंडांचेर

सुरवातेक - आमचे बापा

- उपरांत उचार आनी जोबाब ( 10 फावटी)
- शेवटाक मोयमा बापाक

**सांत आंतोनीच्यो कुरवो**

सांत आंतोन, तुवें मेलोल्यांक जिवे केले, मोरनाचे तोनीर पावलोल्या सोमेस्तांक आनी आमच्या मोगाच्या मेलोल्यांक सासनाचें वोयकूट फावो जावंक विनोत कोर.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन, शुभवोर्तोमानाच्या आपोसला, देवाच्या दुस्मानाच्या खोटेपोणांतलीं आमकां निवार आनी आमच्या पाप सायबा आनी पोवित्र सोबेच्या फुडाऱ्या पासोत विनोत कोर.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन पोदवेदारा इश्टा जेझूच्या काळजाच्या, आमच्या पातकां वोरवीं आमचेर लोटून येवचें आसा त्या दोगदोगांतलीं आमकां निवार.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन तूं दैंवचारांक भायर घालताय, दुस्मानाच्या फासांतलीं आमी भायर सोरूंक आनी ताच्या ताळण्यांचेर जोयत व्होरूंक आमकां आदार दी.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन निर्मोलायेचें तूं फूल, ओत्म्याच्या खोतांतलीं आमकां नितोल कोर आनी आमची कूड सोगल्या पेरीगांतली निवार.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन तूं पिडेवोतांक भोलायकी दिताय आमच्या बोलीकेंतलीं आमकां बोरी कोर आनी आमकां सोदांच बोरे भोलायकेन दोवोर.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन तूं वाट्सूऱ्यांक चोलोयताय, उदकांतल्यान पोयन कोरतोल्या प्रोवाश्यांक तोडीर पावोय, विबाड जावंच्या पेरीगांत आसलोल्यांक सालवार कोर आनी योंडाय उचांबोलायेन चाळोवलेलीं ल्हारां जीं उचांबोलायतात आमचो ओत्मो.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन तूं गुलामांक सोडोयताय, आमकां पातकाच्या गुलामपोणांतली निवार.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन तूं पोवित्रपोणाची झोर. आमच्या भुरग्यांक आनी वाडलोल्यांक, कुडीच्यो वोंडावण्यो पोयस दोवरूंक आनी पोवित्रपोणान जियेवूंक, बापा लागीं कुरपा माग.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन तूं सांडलेल्यो वोस्तू मेळोवून दिताय. आमच्यो सांडलेल्यो वोस्तू आमकां पोरोत मेळोश्यो कोर आनी आमच्या आत्मयाच्या फायदयाक बोऱ्याक पोडटात त्यो वोस्तू ज्यो सांडल्यात त्यो आमकां पोरोत मेळोश्यो कोर.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन तूं मारियेच्या आसऱ्या खाला आसाय. आमच्या ओत्म्याचे आनी कुडीचे पेरीग पोयस काड.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन, तूं सोगल्या आमच्या दुबल्यांक पावताय. आमच्या गोरजांतलीं आमकां पाव आनी सोरगींचें राज जोडूंक आमकां कितें गोरजेचें तें आमकां दी.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

सांत आंतोन लिजबोवा शारांत जोल्मोलेल्या, तुज्या उपकारां पासोत आमी देवाक आर्गां दितांव. आकांताच्या वेळार आनी सोरव गोरजांक आमकां पाव म्हूण आमी तुजे लागीं  मागतांव.

(आमचे बापा, नोमान मारिये आनी मोयमा बापा)

**सांत आंतोनीची लादीन :-**

सोम्या, काकूत आमची कोर

जेझू क्रिस्ता, काकूत आमची कोर

सोम्या, काकूत आमची कोर

जेझू क्रिस्ता, आयक आमकां

जेजू क्रिस्ता, दुलोबायेन आयक आमकां

देवा बापा सोरगिंच्या, काकूत आमची कोर

देवा पुत्रा, सोंवसाराच्या सोडवोणारा, काकूत आमची कोर

देवा पोवित्र आत्म्या, काकूत आमची कोर

पोवित्र त्रित्वे, एकल्याच देवा, काकूत आमची कोर

सोयम्बाचे पातकावीन गोरब सांबावलेले, भागिवोंती माये, आमचे पासोत माग

सांत आंतोन लिजबोवाच्या - माग आमचे पासून

सांत आंतोन सेराफिंच्या ओर्दीच्या ओनोदा - माग आमचे पासून

सांत आंतोन तेस्तेमेंताच्या आर्का - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जाणवायेच्या भोक्तिस्ताना - माग आमचे पासून

सांत आंतोन प्राचिताच्या विजमीता - माग आमचे पासून

आंत आंतोन खालतेपोणाच्या हारश्या - माग आमचे पासून

सांत आंतोन निती फाटल्यान वेतोल्या - माग आमचे पासून

सांत आंतोन आंगसुखाचेर जोयत व्होरतोल्या - माग आमचे पासून

सांत आंतोन खुर्साक लोबदोलोल्या इश्टा - माग आमचे पासून

सांत आंतोन शुभवोर्तोमानाच्या जोळट्या आपोसला - माग आमचे पासून

सांत आंतोन ओनभावार्थयांच्या थोरथोऱ्या - माग आमचे पासून

सांत आंतोन देवचाराच्या कांपेऱ्या - माग आमचे पासून

सांत आंतोन सोम्पुर्नायेच्या प्रोतिमाना - माग आमचे पासून

सांत आंतोन खोशयेन मार्तिरा - माग आमचे पासून

सांत आंतोन पातक्यांच्या उजवाडा - माग आमचे पासून

सांत आंतोन विजमिताच्या बुजवोन्डारा - माग आमचे पासून

सांत आंतोन नेण्टेपोणांच्या राखणारा - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो उलोवणें दिताय मोन्यांक - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो दूसरीं आयकूंक दिताय कान भे-यांक - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो भायर घालताय देंवचाराक - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो गुलाम जाल्ल्यांक सोडोयताय - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो पिडेवोंतांक भोलायकी दिताय - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो मेलोल्यांक जिवोंत कोरताय - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो कुड्ड्यांक दोळे दिताय - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो थोंट्यांक चोलोयताय - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो सांडलोल्यो वोस्तू मेळोयताय - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो वाटसुरांक वाट दाखोयताय - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो निती पासून झुझतेल्यांक सांबाळटाय - माग आमचे पासून

सांत आंतोन जो देंवचाराचें खोटेपोण भोस्मिताय - माग आमचे पासून

सांत आंतोन गुन्यावांक खास्त लायतोल्या - माग आमचे पासून

सांत आंतोन देखी नेण्टुवायेच्या - माग आमचे पासून

सांत आंतोन सोरगींच्या निर्मोलायेच्या फूला - माग आमचे पासून

सांत आंतोन मोगाच्या आगट्या - माग आमचे पासून

सांत आंतोन पोलकेपोणाची बेपोर्वा कोरतोल्या - माग आमचे पासून

दुस्मानाच्या फासांतलीं, निवार आमकां सांत आंतोन

विजां आनी वादोळांतलीं, निवार आमकां सांत आंतोन

सोगल्या पातकांतलीं, निवार आमकां सांत आंतोन

सोगल्या आमच्या जिविताच्या काळांत, आदार आमकां दी सांत आंतोन

देवाचे शेळ्ये, सोंवसाराचीं पातकां धुतोले, भोगोस आमकां सोम्या

देवाचे शेळ्ये, सोंवसाराची पातकां धुतोले, आयक आमकां सोम्या

देवाचे शेळ्ये, सोंवसाराची पातकां धुतोले, काकूत आमची कोर सोम्या

**आंतीफोन** - मानून घेतलोय सोम्या तुज्या चाकराक आनी ताचे वोरवीं व्होडा विजमितां तुवें केलीं. सोगल्या पासून, पोरकोंण्डूं सोम्या तुजें पोवित्र नांव.

ओनोदवोंत सांत आंतोन, आमचे खातीर विनोत कोर

सोम्या जेझू क्रिस्तान बासायलां तें आमकां फावो जांवच्याक.

**मागणें :-**

**प्रातूंया:-** ऐ देवा, औंतरेकलेली पोरोब भागिवोंत आंतोनीची तुज्या कोंफेसोराची खुशाल कोरूं सायबा तुजे ईगोरजेक तिका मेळूंक सोदांच ओत्म्याचो आदार आनी फावो जावूंक भोगूंक सासणाचो सोन्तोस, आमच्या सोम्या जेझू क्रिस्ता वोरवीं. ओशें जांव.

**सांत आंतोनीचें मागणें :-**

"हे भागीवोंता सांत आंतोन, भोक्तां मोदें भोव-भोल्या आनी मोवाला; त्या उलोपांच्या मोगा पासोत जो तुवें देवाचो केलोय; त्या तुज्या वाकाणलेल्या शेगुणां पासोत आनी सावरो नसलेल्या मोगा पासोत, जो पेल्या सोवें तुवें दाखोयलो. फावो जालें तुका तें देणें व्होड आनी विचित्र मिलाग्री कोरचें, ह्याच सोवसारांत आसताना ज्या पोरीं आनी कोणूच भोक्ताक दिलें ना. तुज्या उतराकूच मिलाग्री घोडोत आनी तूं सोदांच आयतो आसलोय उचारूंक तें उतोर गोरजेवोंतांचें मागणें आयकोन उपोद्रयांक सांपोडलेल्यांचीं उलासाचीं मागणीं तुजे सोवें केन्नाच निरफोल जालीं ना. पिडेवोंतांक तूं भोलायकी दितालोय, सांडलोल्यो वोस्तू पोरत्यो मेळोत, दुखान चोडफोडटोल्यां सोवें तुजें काळीज चुरचुरताले, दुखोवलेल्या काळजांतलीं विलापाचीं मागणीं आयकोन मेलोल्यांक पोरयान तुवें जिवे केल्यात.

ह्या सोवसारांत आसलोय तेन्ना तुज्यान कोरी नेजो तोसली वोस्त नासली भारावोन पातोक, पेल्याची दुख आनी कोनिश्टाय पोळेवून ताका आदार दिल्या बोगोर तुज्यान रावो नेजो आसलें. दिरावून ह्या नियाळांनी आनी तुजें मागणें देवा  थांय भोवूच फोळादीक म्हूण जाणा जावन हांव दिमेर पोडलां तुजे इमाजी मुखार आनी सोगल्या विस्वासान म्होज्या काळजाच्या तुका प्रात्तां कोर म्हूण म्हाका हो उपकार जाची म्हाका चोड गोरोज (हांगा सांग तुजी गोरोज) हांव मागतां ती वोस्त म्हाका मेळूंक एके मिलाग्रीची पोऱ्यान गोरोज पोडली जाल्यार तोरूय तुजेर म्होजो विस्वास उणो जांवचो ना कित्याक वोरतोलोय नाय तूं तोच मिलाग्रींचो धोनी जो ह्या सोवसारांत आसताना तुज्या एकाच उतरान व्होडांतल्यो मिलाग्री कोरतालोय? ऐ भोव मोवाला आनी मोगाळा भोक्ता सांत आंतोन तुजें काळीज सोदांच दोयाळ आनी चुरचुऱ्यांचें जावन आसलें तोर त्याच दोयाळपोणान आनी चुरचुऱ्यांनी उलोय एकूच उतोर बाळका जेझूच्या कानांत जो दादोस्तालो तुजे वेंगेंत खेळोंक. तुजें एकूच उतोर पुरो म्होज्या मागण्यांक फोळ मेळोंक. उलोय व्होडा भोक्ता तें उतोर आनी म्होजें किरकोळ आनी दिनवाशी काळीज सोदांच तुज्या उपकारांत रावतोलें. आमेन !”

एक आमच्या बापा, नोमान मोरये आनी मोयमा बापाक - सांत आंतोनीच्या मानाक

भागिवोंत सांत आंतोन - माग आमचे पासोत.

**सांत आंतोनीचें गायोन :-**

*सांत आंतोनी भोक्ता*
*फिरंग्यांचे कुळीच्या*
*तुज्या ग्रोंतार खेळटा*
*बाळोक जेझू आसा*

*बाळोक खेळटा म्हूणोन*
*सांतान घाली दिमी*
*सोमरोन प्राथोन कोरी*
*भोक्ता सांत आंतोनी*

*सांत आंतोनी भोक्ता*
*ओचोऱ्यां तुजीं तेरा*
*चोवदावें कोरी भोक्ता*
*आमा पापयांच्या घारा*

### 4.2.2 सांत जुझे वाझाचें फेस्त

सांत जुझे वाझ हो गोंयचो पूत जो सांत जालो. ताचो जल्म 21 एप्रील 1671 ह्या वर्सा गोंयच्या बाणावले गांवांत जालो.[7] तो आपलो चडसो वेळ मागण्यान सारतालो तशेंच गरीब आनी दुवेंत लोकांची सेवा करतालो. श्रीलंकेंत कातोलीक भावार्थ पोरगोटूंक बंदी आशिल्ली पूण तो गुपतीं भावार्थ पोरगोटूंक लागलो. थंयच्या लोकांचो भावार्थ राखूंक तो भिकारी, काकोणकार, पदेर, नुस्तेकार, धोबीण आनो वेपारी जालो. असले वेग-वेगळे भेस घेवून ताणें थंयचो काथोलीक भावार्थ राखलो. जानेराचे 16 वेर 1711 वर्सा ताका मरण आयलें. सांत जुझे वाझाचें फेस्त पुराय

गोंयांत मनयतात कारण तो गोंयचो पयलो सांत जावन आसा आनी ही परब साश्टी वाठारांतल्या बाणावले गांवांत व्हडा दबाज्यान मनयतात.

**सांत जुझे वाझाचो तेर्स :-**

सोतमांतां मागणें

- पयलो घूट : सांत जुझे वाझा, तूं बाणावले देव भिरांतीच्या घोराब्यांत जोल्मोलोय आमचेय घोराबे बापाच्या मोगान भोर.

**खोंड** : आमचे बापा

**फुडारी** : सांत जुझे वाझा, तूं सुर्या जेझूचो उजवाड पोरजोळायताय.

**जोबाब** : आमच्या पासोत माग सायबा जेझूच्या शिश्या.

- दुसरो घूट : सांत जेझू वाझा, भावार्थाक लागून पिडापीड सोंसतोल्यां भावां-भोयणींच्या आदाराक तूं गेलोय आमचींय काळजां खोंतीन आनी दुखीन आसलोल्यां थांय उगोड.

**खोंड** : आमचे बापा

**फुडारी** : सांत जुझे वाझा, तूं सुर्या जेझूचो उजवाड पोरजोळायताय.

**जोबाब** : आमच्या पासोत माग सायबा जेझूच्या शिश्या.

- तिसरो घूट : सांत जुझे वाझा जेझूची बोरी खोबोर पोशिल्ल्या लोकांक तुवें दिली. जेझूचें राज वाडोवूंक आमकां तुजी उर्बा दी.

**खोंड** : आमचे बापा

**फुडारी** : सांत जुझे वाझा, तूं सुर्या जेझूचो उजवाड पोरजोळायताय.

**जोबाब** : आमच्या पासोत माग सायबा जेझूच्या शिश्या.

- चवथो घूट :- सांत जुझे वाझा पिडेंत सांपोडलोल्यांक तुवें कुडी-ओत्म्याचो इलाज दिलोय आयजूय तुजी मोजोत मागतोल्यांक पिडेवोंतांक बोरीं कोर.

**खोंड** : आमचे बापा

**फुडारी** : सांत जुझे वाझा, तूं सुर्या जेझूचो उजवाड पोरजोळायताय.

**जोबाब** : आमच्या पासोत माग सायबा जेझूच्या शिश्या.

- पांचवो घूट : सांत जुझे वाझा भागिवोंतपोणी जियेवून केंडीयेक तुवें ह्या सोंवसारांत दोळे धांपले, आमकांय शेगुणी जिवीत जियेवून एक भागिवोंत मोरोण फावो कोर.

**खोंड** : आमचे बापा

**फुडारी** : सांत जुझे वाझा, तूं सुर्या जेझूचो उजवाड पोरजोळायताय.

**जोबाब** : आमच्या पासोत माग सायबा जेझूच्या शिश्या.

**फुडारी** : सांत जुझे वाझा आमचे पासोत माग.

**जोबाब** : क्रिस्ताच्यो भासावण्यो आमकां फावो जांवच्याक.

**प्रातूंया** :- देवा, तुज्या यादनीका सांत जुझे वाझाचे देखीन आनी मुन्यारपोणां वोरवीं तुवें तुज्या पोवित्र सोभेक आझीयेच्या शिमां पोऱ्यान

पोर्जोळायली तुज्या चाकरान तुजें दैवीक उतोर पोरगोटुंक आमकां उत्तोम जिविताची देख दिली. आमीय आमच्या झुजांत आनी ओस्कोतायेंत पुण्यवोंत जिवीत जोडूंक आनी ताचे मोजोतीन आमचो भावार्थ ओदीक ओदीक वाडोवूंक आनी शुभवोर्तोमानाचीं विस्वाशी साक्षीधारां आमी जावूंक मागतांव. क्रिस्ता आमच्या सोम्या वोरवीं. आमेन.

**सांत जुझे वाझाचें मागणें :-**

“मोगाळा बापा, तुज्या पुतान आपल्या दोयालपोणाच्या ओजापांनी तुज्या उतराचें बीं मोनशाच्या काळजांनी वोंपलें. तांच्या पावलार पावल दोवरून तुज्या सेवोका सांत जुझे वाझान पोवित्र आत्म्याचे स्फूर्तेन आनी आंकवार मारीयेच्या आसऱ्या खाल आपल्या आख्या जिवितांत बोऱ्यो कोरन्यो केल्यो आनी आमीय सोगल्यांनी तुज्या पुताच्या पावलांनी चोलून भागिवोंतपोणाचो मुकूट जोडूंक जाता म्हूण दाखोयलें. ओसल्या विराच्या जिविताचेर तुजो शिक्को मारून पोवित्र सोभेन ताका सांत म्हूण मानून घेतलो देखून आमी सोंतोस्तांव आनी ताचेच मोजोतीन आमकां हो उपकार फावो जांव म्हूण मागतांव. (वोगीच रावून तुका जाय तें माग). हें मागणें आमी कोरतांव, क्रिस्ता आमच्या सोम्या वोरवीं, आमेन !”

**सांत जुझे वाझाचें गायोन :-**

*जुझे वाझा आमच्या भावा*
*तुजे पासोत आर्गां मोयमा!*
*बापाक, जेझूक, पोवित्र आत्म्याक*

*आर्गां मोयमा सासना सासनाक!*

*वो*

*जुझे वाझा आमच्या भावा*
*तुजे पासोत आर्गां मोयमा!*
*बापाक, जेझूक, पोवित्र आत्म्याक*
*आर्गां दितांव मोयमा गायतांव!*

*मोयमेवोंत जाल्ल्या आमच्या भावा*
*विनोयत्यांक तुजी मोजोत पावोय*
*साक्षी दिवूंक जेझूक भावार्थ पोसरूंक*
*उर्बेन भोर आमकां, आमकां जागोय!*

*पिडा, भूख, झुलूम, दूख-खोंत कितली*
*दुखां पूस भोलाय बूजवोन चोडोय*
*पिळ्ळोल्यांक, पिळ्ट्यांक, इश्टांक, वोय-यांक*
*भोवपोणान शांती भोगूंक जोमोय!*

*माणकुल्या गोंयांत जोल्मा आयलो*
*कोतकोतीत क्रिस्ती घोरांत वाडलोय*

*गिन्यानान हुशार काळजान उदार*
*विस्वाशी खालतो यादनीक जालोय*

*सोर्वकाळाक भुरग्या भोक्तीन तुवें*
*मारीयेच्या हातांत तुकाच घालो*
*उजवाड दिवून तुज्या पावलांक तिणें*
*मोयमोगान आपल्या भुरग्याक राखलो*

*उदेंतीक तांकलें नोकेत्र नोवें*
*पेल्याच्या तारनाक भेटोयलोलें*
*माप मेजोप नास्ताना खोरचीलोलें*
*यादनीकी ल्हानवीक जिवीत तुजें!*

*जिवाची पोरवा कोरीना जावूंक*
*जेझूच्या खुर्सा मुळीं शिकलोय*
*दिस्पोटायलोल्या शेळ्यांक एखटावून*
*श्रीलंकांत धिरान भितोर सोरलोय*

*गोरीबां मोदें गोरीब जालोय*
*सोडोवच्याक कोयद्यांक कोयदी जालोय*
*पिडापीड सोंस्त्यां मोदें लिपलोय*
*दुमाळो वांगडा भोगूंक पावलोय*

*थोकोस घेवून दिस-रात गुपतीं उक्तीं*
*दुस्मानांक मोर्देन फुडो केलोय*
*जेझूची दिर्वीं वाटून दिलीं*
*जेझूचो रूपकार पोरजोळायलो*

*पेज रांदून वाडून, घावे धुवून*
*पिडेस्तांक मांयचो मोयपास दिलोय*
*मोरतोल्यांक कुडी ओत्म्यान राखून*
*सोर्गीचो निवास उक्तो केलोय*

*मोरतोले क्रिस्ती पोरजेक उठोवूंक*

*भागेल्यांक देखीन उतरान ओडून*
*भोव फोळवोंत गांवटी पोवित्र सोभा*
*श्रीलंकांत तुवें हाडली बांदून.*

### 4.2.3 सांत फ्रांसीस शाव्हियराचें फेस्त

सांत फ्रांसीक शावियेर हांचो जल्म फ्रांस आनी स्पेना मदल्या नावारा शारांत शावियेर कोटांत 7 ऐप्रिल 1506 वर्सा जालो.[8] मायाचे 6 तारखेक 1542 वर्सा तो गोंयांत आयलो. होस्पिटलानी वस्ती करून कड्डकारांची आनी हेर पिडेस्तांची ताणे सेवा केली, बंदखणींत आशिल्ल्यांक भेट दिली, रस्तयार कांपिणी वाजोवन गायेनानी दोतोन शिकोवपाक भुरग्यांक एकठांय करून ताणें आपलें कार्य सूरू केलें. सांत फ्रांसीक 46 वर्साचे पिरायेचो आसतना, दिसंबराचे 3 तारखेक 1552 वर्साक ताका मरण आयलें.[9] 16 मार्च 1554 ह्या दिसाक ताची कूड गोंयांत हाडली.[10] ताची पवित्र कूड पोरण्या गोंयांत बोम जेझूच्या बासिलीकेंत दवरिल्ली आसा. 1782 वर्सा सांत फ्रांसीक शावियेराचें पयलें एक्सपोजिशन जालें. दर धा वर्सांनी हें एक्सपोजिशन जाता. डिसेंबराच्या 3 तारखेक सांत फ्रांसीक शावियेराचें फेस्त पुराय गोंयांत तशेंच साश्टी वाठारांत व्हडा दबाज्यान मनयतात.

**सांत फ्रांसीस शाव्हियराचें मागणें**

“भागिवोंत फ्रांसीस शाव्हिएरा जेझूच्या मोगान तुजें काळीज सोगलेंच लासतालें देखून जेझचें नांव आनी सोडवोणेची बोरी खोबोर पोरगोटूंक

देसा - देसांनी तूं गेलोय आनी तुजो जीव झोरोवून मेलोय. त्या पासोत बापान तुका सोर्गार मोयमन भोरलो आनी सोंवसारांत तुजी कूड लेगीत कुसूंक दिली ना. ह्या देण्या खातीर सांतोसान आमी बापाक दिनवासतांव आनी आतां आमचेच पासोत तुजी विनोती मागतांव (जोण एकल्यान आपणाक जाय तें फ्रांसिस शाव्हिएराकोडें मागचें) आमचे ओंतरेक बापाक मानतात तोसले जाल्यार तुजे विनोतीन ते शार्ती पावोय म्हूण मागतांव आनी सोगटा पासोत तुजे बोरोबर जेझू वोरवीं पोवित्र आत्म्या सोवें बापाक वाकाणटांव. आमेन!”

**सांत फ्रांसीस शाव्हियराचें गायोन :-**

*सांत फ्रांसीस शाव्हियरा व्होडा कुंवरा*
*रात दिस आमच्या मोगान लास्तोल्या*
*बेसांव घाल सायबा, देसार गोंयच्या*
*सांबाळून आमकां गोपांत तुज्या*

*बेपोरवा कोरून सोंवसाराची*
*देवाची तुवें केली चाकरी*
*आमी सोमेस्त मागतांव मोजोत तुजी*
*कोरताय म्हूण मिलाग्री मिलाग्री*

*आज आनी सोदां आमचे खातीर*
*विनोती कोर तूं देवा लागीं*
*जेझू सारकें जांव जिवीत आमचें*
*आमी पावोसोर तुजे सोरशी*

### 4.2.4 सांत सेबास्तियांवाचें फेस्त

सांत सेबास्तियांवाचो जल्म 256 इसवी सना पयलीं नार्बोन फ्रांस हांगा जालो.[11] सांत सेबास्तियांव हाका पेस्त - पिडा तशेंच खास करून महामारी आड राखण करपी पात्रोन म्हण वळखतात. रोमाच्या राजान क्रिस्तांव लोकांचो दुस्वास केलो आनी जर तांणी रोमन मूर्तींची पुजा केली ना जाल्यार रोम सोडून वचपाक पडटलें असो आदेश दिलो. ताच्या राजकरणा खाला क्रिस्तांव लोकांक जायती पिडापीड सोंसची पडली. सांत सेबास्तियांव आपल्या बरोबरच्या रोमन सैनिकांक क्रिस्तांव धर्मांत हाडिल्ल्यान ताका डायोक्लेशियनांन बाणांनी मारपाचो आदेश दिलो. बाणांनी मेल्या उपरांत ताका मेलो म्हण सोडलो पूण एके विधवेन ताका आपल्या घरा व्हरून ताची सेवा केली. बरो जाल्या उपरांत ताणें स्वताक डायोक्लेशियनाच्या मुखार सुवादीन केलो आनी उपरांत ताचो जीव वचसर ताका मार घातलो. सांत सेबास्तियांवाचें फेस्त साश्टी वाठारांतल्या आकेंच्या सांत सेबास्तियांवाचें फिर्गजेंत, गोबराच्या बुधवारा (Ash Wednesday) पयलीं जो आयतार येता त्या दिसा मनयतात.

**सांत सेबास्तियांवाचो तेर्स :-**

सोतमांतां मागणें

**फुडारी** : भोक्ता सांत सेबास्तियांव (7 फावटी)

**सगळीं** : आमचे व्हेली पेस्ती निवार (7 फावटी)

**शेवटाक** :

सांत सेबास्तियांव, भागिवोंता

तूं सोरगिंचें सूख वोनदिता

विनोती कोर आतां आनी आमच्या मोरनाच्या वेळार

कुडीची ओत्म्याची पोयस कोर पेस्त पिडा.

**सांत सेबास्तियांवाची लादीन आनी मागणें :-**

सोम्या आमची काकूत कोर - सोम्या आमची काकूत कोर

क्रिस्ता आमची काकूत कोर - क्रिस्ता आमची काकूत कोर

सोम्या आमची काकूत कोर - सोम्या आमची काकूत कोर

क्रिस्ता आयक आमकां - क्रिस्ता दोयेन आयक आमकां

देवा सोर्गींच्या बापा - आमची काकूत कोर

देवा पुत्रा सोंवसाराच्या सोडवोणारा - आमची काकूत कोर

देवा पोवित्र आत्म्या - आमची काकूत कोर

भोव पोवित्र त्रितवे एकल्याच देवा - आमची काकूत कोर

भागिवोंती मारिये मार्तीरींचे राणे - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव सोदांच जोयतीवोंत हात्यारा - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव उंच कुळाच्या आनी मानाच्या सोयनीका - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव क्रिस्ताच्या ओनोदवोंत हात्यारा झुजा-या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव क्रिस्ती सोयनिकाच्या पात्रोन आनी आरश्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव सोंवसाराक फाट कोरतोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव सोयतानाचेर जोयत व्होरतोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव मोरणा - तोंडीर पावलोल्यांक घोटाय दितोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव दुखेस्तांक भुजवोण दितोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव देवा उतोर पोरगोट कोरतोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव शाराच्या आनी देसाच्या राखोणदारा - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव श्रेश्ट गुणांनी आनी शाणेपोणान भोरलोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव देवा आनी पेल्याच्या मोगाळा - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव उतरांनी आनी कोरन्यांनी पोदवेदार - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव पिडा-पिडेंत तोशें मोरणांत क्रिस्तांवांक बोळ आनी घोटाय दितोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव निर्नोल्या आनी ओसोक्त भावार्थयांक ओकोंड कोरतोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव दुभावतोल्यांक तिरासोन दितोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव देवाच्या मोगान पेटोन पिडापीड दितोल्यांच्या दुमाल्यांक फुडो कोरतोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव सोर्गीच्या पोरजोळान भोरलोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव आंज-भोडव्यांची शिकवोण घेतेल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव मोन्यांक जीब दितोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव सोता खातीर बाल्यांनी विणलोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव दांड्या-थोंक्यांनी जिवो मारलोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव सासणाच्या सुखाचो मुकूट जोडलोल्या - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव धोन्या देवा मुखार आमच्या मोदेस्ता - आमचे पासून माग

भागिवोंत सेबास्तियांव सोरव पेस्त पिडेंतले ओदीक कोरून ओश्याचे पिडेंतले निवारूंक देवा हुजीर भोव पोदवेदारा - आमचे पासून माग

देवाचे शेळ्ये सोंवसाराचें पाप काडटेले - निवार आमकां सायबा

देवाचे शेळ्ये सोंवसाराचें पाप काडटेले - दोयेन आमकां आयक सायबा

देवाचे शेळ्ये सोंवसाराचें पाप काडटेले - आमची काकूत कोर सायबा

**प्रातूंया :-** काकूतसारा बापा तुज्या पोवित्र मार्तिरा सांत सेबास्तियांवांक फुडें घालून आमकां राख आनी सांबाळ म्हूण तुजे लागीं मागतांव. आमची आकेंची फिर्गोज जी ताच्याच मानांक सोमोरपिल्या तिचेर तुजो आशिर्वाद घाल.ताचे पोरबेक आमी मागणयांतल्यान तोयारी कोरताना आमची गोरोज आमी तुजे मुखार दोवोरतांव आनी तुजी खुशी जाल्यार आमी मागतांव तें आमकां फावो कोर त्याच क्रिस्ता आमच्या सोम्या वोरवीं. आमेन!

**सांत सेबास्तियांवाचें गायोन :-**

*सांत सेबास्तियांव भोक्ता दोयाला,*
*वोयजांच्या वोयजा भोव निर्मोला,*
*देवा लागीं मागून, मोगाला,*
*निवार आमचे व्हेली सोर्व पिडा*

## 4.3 साश्टी वाठारांतलीं मुखेल खुरसाचीं फेस्तां

### 4.3.1 हांडी खुरसाचें फेस्त

चडशीं खुर्साचीं फेस्तां मे म्हयन्यांत समरंभतात. सगळ्या खुर्साच्या फेस्तांचें एक खाशेलें गायोन म्हणल्यार 'सांता खुरीसू'. पूण हांडी खुर्साचें एक खाशेलें आनी वेगळें गायोन आसा. हांडी खुर्साचें फेस्त ऑगस्टाच्या 20 तारखेर साश्टी वाठारांतल्या मायणा कुडतरी हांगा मनयतात. हांडी खुरीस हो एक मिलाग्रींचो खुरीस जावन आसा. फेस्ताच्या दिसा सांत कासियेची रिता फिर्गजेंत मीस आसता उपरांत लोक हांडी खुर्सा लागीं उमो घेवूंक वतात. हो शेतकारांनी बांदिल्लो खुरीस जावन आसा. लोक आपल्यो आंगवणी फारीक करपाक वा आपणें मागिल्लें मेळिल्यान फेस्ताच्या दिसा जेवणा खाणाच्यो वस्तू दितात ज्यो लोकांमदीं वांटतात. ह्या फेस्ताचें एक खाशेलपण म्हणल्यार चुट्टी मोडून थंय मागणें करतात.[12]

**हांडी खुर्साचें मागणें :-**

ओ भोव काकूतीच्या हांडी खुरीस

तूं कोरताय मिलाग्री सोमेस्ता थांय

आनी सोगळ्या गोरजांक पावताय

काकूत कोर आमची सोगल्या पातक्यांची

आनी कुर्बान आमकां दी सोदांच

तुजो मोग आसूंक सोगल्या आमच्या जिवितांत

आतां आनी सोदांकाल. आमेन.[13]

**हांडी खुर्साचें गायोन:-**

*पोवित्र खुर्सा मोवाल उतरां*
*काळजांत आमच्या रिगोयतांव*
*पोलोंग तूं सोडवोणाराचो*
*नोमान तुका आमी कोरतांव*

*कूड ओत्मो नासलोलो व्हड भागिवोंत*
*तुजी सावळी लेगून ओनोंदवोंत*
*जेझू तुजेर कोश्टोवलोलो तीं वोरां*
*फोकोत सोडोंवच्याक [14]*

### 4.3.2 बाराडी खुरसाचें फेस्त

बाराडी खुर्साचें फेस्त मे म्हयन्याच्या 3 तारखेक मनयतात. हें फेस्त साश्टी वाठारांतल्या बाराडी गांवांत जाता. बाराडी खुर्साचें कोपेल 1983 वर्सा बांदलें. त्या खुर्साकडेन वचपाक एकाद्र्या मनशाक जायते पांवडे चलून वच्चें पडटा. ह्या खुर्साची माडी आनी नोवेनां जातात. फेस्ताच्या दिसा सांजेच्या वेळार लोकांच्या मनोरंजना खातीर तियात्र दाखोवप जाता. लोकांच्यो आंगवणी पूर्ण जाल्या उपरांत तीं खुर्साचे भोंवतणी फेरो मारतात.

**खुर्साचें गायोन :-**

*सांता खुरीसू*

*क्रिस्तावांचो धीर आदारु*
*तुवें कोरचो आमचो सोमेस्तांचो*
*सोरवोय सांबाळू*

*रुखू कातरुनू*
*खुरीस घोडिलो*
*तोय खुरीस खांदार दिवून*
*जेझूक मोंती कालवार व्हेलो*

*मोंती कालवार व्हेलो*
*जेझूक खुर्सार खिळायलो*
*जेझू क्रिस्त खुर्सार आसताना*
*खुरीस नेमांत शेवटिलो*

## 4.4 साश्टी वाठारांतलीं हेर मुखेल फेस्तां

### 4.4.1 पुरुमेंताचें फेस्त :-

पुरुमेंताच्या फेस्ताक इस्पीसांताचें वा पोवित्र आत्म्याचें फेस्त अशेंय म्हणटात. हें फेस्त पास्कांची पोरोब जावन सातव्या आयतारा मनयतात.[15] हें फेस्त पावसाच्या रुतू पयलीं आशिल्ल्या कारणाक लागून ह्या फेस्ताक येवपी / विकरेक आशिल्लो गरजेच्यो वस्तू जश्यो मिरसांगो, खारें, सोल्लां आदीं लोक विकतें घेवून पावसाच्या तेंपा खातीर ह्या वस्तूंचो पुरुमेंत करून दवरताले. पयलींच्या काळार आतां जश्यो पावसाच्या तेंपार आमकां जेवणा-खाणाच्यो वस्तू सहजपणी मेळटात

तश्यो त्या तेंपार मेळनाशिल्ल्यो. देखून ह्या फेस्ताक पुरुमेंताचें फेस्त अशें म्हणटात.

**पोवित्र आत्म्याचें गायोन :-**

*रोचनार आत्म्या देवून ये*
*आमच्या ओत्म्यांत बिराड कोर*
*तुवें काळजां रोचलाय तीं*
*सोर्गाविले कुर्पेन भोर*

*धीर-बोळ दिनार शेकाय तूं*
*देणें वोर्त्या देवाचें*
*मोग-उजो, जिवी झोर*
*दुलोब तेल तूं ओत्म्याचें*

*सात देणयांची तूं गिरेस्तकाय*
*तूं बोळ देवा- बापाचें*
*देणें बापान बासायल्लें*
*उतोर गोवाय-तोंडांतलें*

*आमच्या मोनाक उजवाड दी*
*काळजांक मोगा उजो लाय*
*ओस्कोत सोंयम्बांक आमगेल्या*
*निरोंतोरी दी घोटाय* [16]

**मागणें**

तुज्या आत्म्याक धाड सोरवेस्पोरा आनी तुजी रोचना जिवोंत जातेली (उचार)

आनी प्रितुमेचें रुपूच तूं नोवें कोरतोलोय (जोबाब)

**प्रातूंया :-**

देवा आमच्या बापा तुज्या पोवित्र आत्म्या वोरवीं भावार्थयांचीं काळजां आनी मोनां उजवाडायलीं. ताकां तुज्या जिविताच्या गुटाची वोळोख दिली. ह्या आत्म्याच्या उजवाडान कितें बोरें आनी कितें सारकें तें सोमजून घेवूंक त्याच मोगाच्या आत्म्याची भुजवोण सोदांच भोगूंक आमकां फावो कोर. तूं जो जियेतात आनी राजवोट चोलोयताय सासनाच्या सासनाक. आमेन.

देवाचो आशिर्वाद आसूं सोदां आमचे थांय. आमेन.

### 4.4.2 कोणसांचें फेस्त

नेवीस सायबिणीचें फेस्त हाका 'कोणसाचें फेस्त' अशेंय म्हणटात. हें कोणसाचें फेस्त साश्टी वाठारांतल्या राय गावांत खूब फामाद आसा. हें फेस्त ऑगस्टाच्या 5 तारखेर दबाज्यान मनयतात. वर्साचें पयलें कणस कातरपाची संद आनी परंपरा रायच्या लोकांमदीं आसा जी ह्या फेस्ता दिसा करतात. फेस्ताच्या मिसा पयलीं पाद्री आनी लोक शेतांत वचून कांय मागणीं म्हणटात उपरांत शेताचेर आशिर्वाद घालून कोणसां कापतात. वर्साचें पयलें कणस कातरपाचें आनी कणसाचें फेस्त मनोवपाचें भाग्य रायतूरचे इगर्जेक आसा.[17] हीं कोणसां कातरल्या उपरांत इगर्जेंत भेटोवणेक व्हरतात आनी मिसाची भेट जाल्या उपरांत दर एका कुटुंबाक एक कणस घरा व्हरूंक दितात.

**नेवीस सायबिणीचें गायोन**

*आमचे नेवीस सायबिणी*
*आमी तुजीं ओस्कोत भुरगीं*
*घोटाय दी गे माये आमकां*
*तुज्या धिरान सांबाळ सोदां*

*आमच्या गांवची आसकारीण तूं*
*सोगल्यांक आमकां दोवर सांबाळून*
*बेसांव घाल गे दोवर घोराब्यार*
*सोंकोश्टांतली सोदांच निवार*

*काळखे जिणेंत आमी सांडल्यार*
*दाखोय आमकां तुजो उजवाड*
*पातकां ताळनेंत आमी पोडल्यार*
*तुज्या हातान आमकां निवार*

### 4.4.3 मिनींन जेझूचें फाम

मिनींन जेझूच्या फेस्ता परस मिनींन जेझूचें 'फाम' वा जाका माडी म्हण्टात ताचें व्हडा दबाज्यान समारंभ जाता. 'फाम' म्हणल्यार एके तरेन नोव्हेनाच्या आरंभाची घोशणां. मिनीन जेझूची मुर्ती 'फा. बेन्टो फरेया' ह्या जेजुईत पाद्रीक मोजांबीक जुंव्यांचेर मेळ्ळी.[18] ही मुर्ती पयलीं त्या पाद्रीन कोलवाच्या मेर्सेस सायबिणीचे इगर्जेत दवरली उपरांत ती मुर्ती रायतूर सेमिनारींत व्हेली. कोलवाच्या लोकांनी ही मुर्ती परत कोलवाच्या इगर्जेंत हाडचे खातीर विनोवणी केली पूण कांयच फायदो

जावंक ना देखून त्या लोकांनी एक नवी मिनीन जेझूची मुर्ती हाडली. पयलींची मुर्ती व्हरतना मिनीन जेझूच्या मुर्तीक घातिल्ली 'मुदी' कोलवाच्या इगर्जेंत उरली. ही मुदी नव्या मुर्तीक घातली आनी ह्या नव्या मुर्तीची स्थापना जाल्या उपरांत लेगीत मिलाग्री चालूच आसात. मिनीन जेझूच्या फामा दिसा लोकांक मिनींन जेझूचो उमो दितात जाल्यार ल्हान बाळकाक इगर्जेच्या आलतारार घालतात.[19] हें कांय जाण आपल्यो आंगवणी फारीक करपाक करतात जाल्यार कांय लोक त्या ल्हान भुरग्यांक जेझूचो आशिर्वाद मेळचे खातीर करतात. हें फाम ओक्टोबराच्या दुसऱ्या सोमारा दिसा कोलवाच्या मेर्सेस सायबिणीच्या इगर्जेंत जाता.

**मिनीन जेझूचें गायोन :-**

*बाळोक जेझू मोगाळ आमचो*
*उजवाड सोरगा - सोंवसाराचो*
*सोंतोस आमा - सोमेस्तांचो*
*पोरजोळ मोनार नोकेत्राचो*

*बाळोक जेझू ओमुर्त आमचो*
*वोर्तो ओनोंद सेराफिंचो*
*ओनोद आंज्यांनी भोडव्यांचो*
*मुकूट सोगल्या आंकवारींचो*

*बाळोक जेझू कोळ्यान आमचें*
*तारोन आमच्या सोंवसाराचें*
*आनी सुखू केरोबींचें*

*जिवीत आमा - पोर्देश्यांचें*

*बाळोक जेझू मोगाळ आमचो*
*धोनी आमच्या सोंवसाराचो*
*राजा कुंवोर सोरव प्रितवेचो*
*तारोक आमा सोरव पातक्यांचो*

*बाळोक जेझू तारोक आमचो*
*सासना रोस्तो वोयकूटाचो*
*तुका आमी सोदांच चोयचो*
*सासना - राज्यांत तुका भोगचो*

**मिर्नीन जेझूचें मागणें :-**

**जेझू तुवें सांगलाय :** माग आनी तूं घेतोलोय, सोद आनी तुका मेळटोले, दारार मार आनी तुका तें उगतें जातेलें, तोर तुजे भोव पोवित्र माये मारियेचे मोजोतीन हांव दारार मारतां, हांव सोदतां आनी म्होजें मागणें आयकून घेवून  हांव मागतां तें म्हाका दी.

(हांगा तुका गोरोज तें माग)

**जेझ तुवें सांगलाय :** म्होज्या नावान कितेंय मोज्या बापा लागीं मागल्यार, तो तुमकां दितोलो म्हूण तोर तुजे भोव पोवित्र माये मारियेचे मोजोतीन तुज्या नांवान तुज्या बापा लागीं मागतां तें म्हाका मेळोशें कोर.

(हांगा तुका गोरोज तें माग)

**जेझू तुवें सांगलाय :** सोर्ग आनी सोंवसार सोरोत पूण तुजें उतोर सोरचें ना, तोर पोवित्र माये मारियेचे मोजोतीन हांव मागतां तें तूं दितोलोय म्हूण म्हाका थीर भोरवांसो आसा.

(हांगा तुका गोरोज तें माग)

**4.4.4 तीन रायांचें फेस्त**

तीन रायांचें फेस्त हें जानेवारीच्या 6 तारखेक साश्टी वाठारांतल्या कांसाले आनी चांदोर गांवांत व्हडा दबाज्यान मनयतात. ह्या फेस्ताक तीन चलयांक राजाचो भेस घालून घोड्यार बसोवन इगर्जे मेरेन हाडटात.[20] हे तीनूय चले तीन वेगळ्या दिशेंतल्यान येतात आनी एके सुवातेर एकामेका भेटतात आनी उपरांतची फुडली वाट ते बरोबर तांकतात. जेझूक भेटूंक आयिल्ल्या तीन विद्वानांच्या घडणूकेचें प्रदर्शन हातूंतल्यान आमकां पळोवंक मेळटा. जेझूक भेटूंक वतना तांणी भेट वस्तू व्हेल्ल्यो तशेंच हेवूय चलया भुरग्यांच्या हातांनी भेट वस्तू आसतात.

**तीन रायांचें गायोन :-**

*पोशिल्ल्या देसांतले*
*जेजूक भोजूंक आयले*

*तेग विदवान उदेंतीचे*
*आपलो गांव सोडून आयले*
*नोकेत्रा फाटल्यान गेले*
*जेरुजाल्याक ते पावले*

*पातशाय खोंय जुदेवांचो?*
*राजा खोंय गा जोलमोला*
*नोमोस्कार ताका कोरच्याक*
*ताका आयल्यांव पायां पोडच्याक*

*होरेदाक विचार केलो*
*तो सोगलोच रे घाबोरला*
*यादनीकांक शास्त्र्यांक हाडले*
*तांकोडे विचार केले*

**4.4.5 सांजाव**

'सांजाव' हें सांत जुआंवाचें फेस्त जावन आसा. तरणाटे तशेंच भुरगीं उमळशिकेन ह्या फेस्ताची वाट पळयतात. हें फेस्त साश्टी वाठारांतल्या सांत जुझेची इगर्ज बाणावली हांगा व्हडा दबाज्यान मनयतात. हें फेस्त जूनाच्या 24 तारखेर मनयतात. चडशे सांताचें फेस्त तांच्या मरणाच्या दिसा मनयतात पूण सांत जुआंव बाप्तिस्ताचें फेस्त ताच्या जल्माच्या दिसा मनयतात. सांत जुआंवाची आवय आंकवार मारियेची मावशी भयण. जेन्ना जुआंव एलिजाबेथीच्या कुसव्यांत आसलो तेन्ना आंकवार मारी गोरबेस्त अवस्थेंत तिका भेटूंक वेता आनी त्या खिणाक जुआंव बाप्तिस्त खुशालकायेन कुसव्यांत उडी मारता देखून ह्या दिसा लोक खुशालकायेन सांजाव मनयतात आनी परंपरा म्हण बांयत उडी मारतात. ही बांयत उडी मारपाची परंपरा इगर्ज मानून घेना कारण हें करताना खूबशे अपघात

जातात आनी लोकांच्या जिवाकूय धोको आसता. सांजावाक लोक पातोळ्यो करतात आनी एकामेकाक वांटतात.

### 4.4.6 केळ्यांचें फेस्त

'केळ्यांचें फेस्त' हाका पयलीं 'ग्वादालूप सायबिणीचें' फेस्त अशें म्हणटाले जाल्यार हालींच्या काळार तें नांव बदलून गोरबेस्त सायबिणीचें फेस्त हें नांव ताका पडला. हें फेस्त डिसेंबराचे 18 तारखेक सांत आलेक्साची फिर्गज कुडतरी हांगां मनयतात. एका काळार जायते केळ्यांचें घडे फेस्ताचे फेर्यंत हाडटाले आनी तांची पावणी जाताली देखून ताका केळ्यांचें फेस्त अशें म्हणटात. पूण आतां आमकां त्या फेस्ताक केळ्यांचें घड विकरेक हाडिल्ले दिसनात.[21]

**गोरबेस्त सायबिणीचें गायोन :-**

*गोरबेस्ती माये आमचे सायबिणी*

*तूं आमचें जिवीत*

*नोकेत्र लोकलोकीत*

*उजवाडाय आमकां*

*आदार दी सोदां*

*आसऱ्या तुज्या खाला*

*आमकां तूं सांबाळ*

*पातकी तीं भुरगीं तुजीं*

*राणी आदार दी*

### 4.4.7 पेरांचें फेस्त

'पेरांचें फेस्त' हें खंयचेय एक वेगळें फेस्त नासून तें 'सांत जोकींचें फेस्त' जावन आसा. ह्या फेस्ताक पेरांचें फेस्त म्हणपाचें कारण म्हणल्यार त्या फेस्ताच्या दिसा वर्सान वर्स फेरी भरताली आनी ते फेरयेंत खूब पेरां विकपाक हाडटाले. हीं पेरां बरीं मसालो लावून विकरेक आसतालीं. थोडे लोक आपूण पेरां विकतीं हाडून कोपेला कडेन विंकताले आनी उपरांत जो खर्च जाला ते पयशे काडून जो कितें फायदो जाला तो कोपेलाक दिताले. पेरां हाडपाची परंपरा ही खुबशा वर्सां पयलीं चलत आयिल्ली आसा. हया कारणाक लागून ह्या फेस्ताक 'पेरांचें फेस्त' अशें म्हणटात. हें फेस्त साश्टी वाठारांतल्या सांत जोकींचें कोपेल बोर्डा हांगा 15 ऑगस्ट जातकच जो आयतार येता त्या दिसा मनयतात. हेर जाग्यांचेर सांत जोकीं आनी आनाचें फेस्त जुलायाच्या म्हयन्यांत बरोबर मनयल्लें दिसता पूण ह्या कोपेलाचें खाशेलपण म्हणल्यार हांगा फक्त सांत जोकींचें फेस्त दबाज्यान मनयतात. ह्या फेस्ताक विकरेक हाडिल्लें एकूय पेर उरनाशिल्लें अशें थंयचो लोक म्हणटात.

**भागिवोंत जोकींचो तेर्स :-**

**उचार** - प्रोतीभोक्त तूं भोक्ता सांत जोकी

**जोबाब** - आमचे पासून माग तूं देवा लागीं

(उचार आनी जोबाब धा फावटी म्हणचो)

आदाराच्या सांत जोकीं भोक्ता

सोम्या जेझू क्रिस्ताच्या आज्या

मागून तुज्या नात्वा लागीं

पावोय आमकां  तुज्या सांगाता

**भागिवोंत जोकींचें गायोन :-**

*भागिवोंत जोकीं प्रितीच्या*
*शेपाय तूं सोम्या जेझूचो*
*बापूय तूं आंकवार मारियेचो*
*पोती तूं भागिवोत आनाचो*

*भागिवांत जोकीं प्रितीच्या*
*पाव सोरव गोरजांक आकांताक आमच्या (2)*

*पोरजोळ तूं सोरगा - राज्याचो*
*राखणो सोगल्या भोडेकारांचो*
*सांबाळ कोर आमचो सोमेस्तांचो*
*उजवाडान भोर फुडार आमचो*

प्रस्तूत अध्यायांत साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांची एक उडटी वळख मांडपाचो यत्न केला. धर्माची वळख करून दितना ह्या फेस्तांचें धर्मीक नदरेंतल्यान म्हत्व, धर्मीक मागणीं, तेर्स, गायन हांचोय आसपाव जाल्लो आसा. तशेंच ह्या फेस्तां मनोवपाचे परंपरेंत दिसून येवपी संस्कृतीक गजालींचेंय वर्णन केल्लें आसा.

**संदर्भवळेरी :-**


1. https://youtu.be/VLJ2VupvOfM?si=uNTlSmzmeUKqgIMf
2. https://youtu.be/nA7k1bnsAP8?si=y7zpXNbZp1vYN5IM
3. https://www.youtube.com/live/EIGqO8GB_OE?si=ufUGQvTRaOLLig3O
4. *Gaionancho Jhelo*. Goychi Sevadhormik Somiti, Adlem Goem, 1995, 222
5. https://www.stanthony.org/who-st-anthony/
6. Rodrigues, Maria. *Feasts, festivals and observances of Goa.* L&L Publications, Merces Tiswadi, 2004, 133
7. Altaide, Fr. Mousinho. Bhag. Juze vaz:Jezucho ani Moriecho Gulam. THIRD MILLENNIUM, panjim, 2015,15
8. द सोजा, मोरेन. *गोंयचो सायब (सांत फ्रांसिस्क शाव्येर).* तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र, आल्त पर्वरी, 2004, 2.
9. Gomes, Fr. Luis. Kampinnkar – Sant francis xavierachem choritr. Konknni mogi prokaxon, karai shiroda, 2014,71
10. आदलोच संदर्भ, द सोजा, मोरेन. गोंयचो सायब (सांत फ्रांसिस्क शाव्येर). तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र, आल्त पर्वरी, 2004,63.

11. https://www.figliedellachiesa.org/en/blog-en/spirituality/st-sebastian.html
12. https://youtu.be/o5zMyUKHOEo?si=tAAj0bY4ta8V2VyR
13. https://youtu.be/YnN1C84fG8A?si=O5vH-kguIgYXNKoX
14. वयलोच संदर्भ
15. Lourenco, Jose. The Parish churches of Goa. Amazing Goa Publications, Comba Margao, 2005,110.
16. https://www.youtube.com/live/vZi3m7w9GW0?si=HgWj8o_ED8qK9q1f
17. Gonsalves, Michael. “Raia’s Harvest Fest : A festival of eco – Spirituality”. GOA TODAY, September 2007,25.
18. आदलोच संदर्भ, Rodrigues, Maria. Feasts, festivals and observances of Goa. L&L Publications, Merces Tiswadi, 2004,99.
19. Paiva, Maria, Malkarnekar, Sneha. Goa Today – Articles on villages of South Goa. Goa state central Library in-house publication no. 11,Panjim,2014,81.
20. दळवी, सतीश. गोंयचे सण, उत्सव आनी व्रतां. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, 88.
21. Almeida, Celina. “Curtorim’s Kelleam Fest”. GOA TODAY, December 2008,34.

# पांचवो अध्याय

## 5. निश्कर्श आनी समारोप

5.1 निश्कर्श

5.2 समारोप

**5. निश्कर्श आनी समारोप :-**

साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो समाजीक आनी संस्कृतीक अभ्यास करपी ह्या प्रस्तूत सोदवावराच्या पयल्या अध्यायांत विशयाची प्रस्तावना, वळख आनी मर्यादा, विशय निवडपा फाटलो हेतू, अभ्यासाची पद्दत तशेंच विशय प्रवेश हांचेर भर दिल्लो आसा आनी सोदवावराचो पुराय अभ्यास मुखावेल्या अध्यायांनी मांडला. देखीक : दुसरो अध्याय, तिसरो अध्याय, चवथो अध्याय.

दुसऱ्या अध्यायांत साश्टी वाठाराची वळख करताना ताची इतिहासीक, भुगोलीक, समाजीक आनी संस्कृतीक वळख हाचो आसपाव ह्या अध्यायांत जाला. तशेंच साश्टी वाठारांतल्या फिर्गजेच्या फेस्तांचो तकटोय ह्या अध्यायांत दिला.

तिसऱ्या अध्यायांत क्रिस्ती धर्मांतल्या वेंचीक फेस्तांचो अभ्यास करताना ताची विभागणी हे तरेन केल्या देखीक : क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक संताचीं फेस्तां, क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक खुर्साचीं फेस्तां, क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक सायबिणीचीं फेस्तां आनी क्रिस्ती धर्मांतलीं वेंचीक जेझूचीं फेस्तां.

चवथ्या अध्यायांत साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो अभ्यास करून ताची विभागणी 4 भागांनी केल्या देखीक साश्टी वाठारांतलीं मुखेल सायबिणीचीं फेस्तां, साश्टी वाठारांतलीं मुखेल संताचीं फेस्तां, साश्टी वाठारांतलीं मुखेल खुर्साचीं फेस्तां आनी साश्टी वाठारांतलीं हेर मुखेल फेस्तां. हातूंत साबार फेस्तांची धर्मीक आनी संस्कृतीक वळख घडयल्या.

## 5.1 निश्कर्श :-

समाजांतल्या जायत्या घडणुकांनी प्रत्यक्षांत कांय बऱ्यो गजाली मुखार सरत आसतात. जात्रा, काले, फेस्तां, मेळावे अश्यो जायत्यो घडणुको समाज मनाक एक सकारात्मक नदर दिता. साश्टी वाठारांतल्या क्रिस्ती धर्मां मदींय अश्यो कांय मुखेल समाजभिमूख गजाली घडटात. सकयल दिल्ल्या कांय मुद्द्यांच्या आदारान साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांची समाजीक नदरेंतल्यान चिकित्सा करूं येता.

**फेस्तांतलो भावार्थ आनी श्रध्दा :**

भावार्थाचें एक प्रतीक म्हणून फेस्तांचो समारंभ जाता. लोक भावार्थान सातत्यान 'नोवेनां' वा 'त्रेजेन' करतात आनी सायबिणीच्या वा संताच्या विनोवणेंतल्यान देवा कडेन आपल्याक जाय तें भावार्थान मागतात. म्हणटकूच भावार्थ आनी श्रध्दा ह्यो दोन गजाली हांगां समाजाक प्रेरक करतात.

**फेस्तांतलीं धार्मीक प्रार्थनां :**

साश्टी वाठारांतल्या फेस्तांनी जायत्यो धार्मीक गजाली समाजीक पांवड्यार म्हत्वाच्यो थारतात. सायबिणीचें बेतीन, रोजाराचें कोंत, मिनीन जेझूचें बेतीन हीं कांय भावार्थाचीं प्रतिकां जावन आसा जीं क्रिस्ती लोक गळ्यांत घालतात आनी हाताक बांदतात. हीं प्रतिकां घातिल्ल्यान सगळ्या वायट आनी संकश्टांतल्यान सुरक्षा मेळटा असो भावार्थ आसा. कार्म सायबिणीच्या फेस्ताक मडगांवच्या 'कार्मेलीत कोवेंतांत' सगळ्या लोकांक

बेतीनां वांटतात. धार्मीक प्रार्थनां भितर तेर्स, नोवेनाचें मागणें, गायोन हांचो आसपाव जाता. हीं गायोना संतांच्या जिविताचेर वा ताणीं केल्ल्या मिलाग्रींचेर आदारीत आसतात. देखीक : 'जुझे वाझा आमच्या भावा' हें गायोन सांत जुझे वाझाच्या जिविताचेर आदारिल्लें आसा जाल्यार 'सांत आंतोनी भोक्ता' हें गायोन सांत आंतोनीच्या मिलाग्रींचेर आदारीत आसा. 'सांत सेबास्तियांव भोक्ता' हें गायोन पेस्त-पिडेंतलीं निवारूंक सांत सेबास्तियांवा कडेन एक विनंती जावन आसा. हेर सायबिणीच्या वा संताच्या गायोनांनी मनशाक जिणेंतल्या दर एक संकश्टाक फुडो करपाक तशेंच एक शेगुणी जिवीत जियेवपाक आदार दी म्हण मागतात म्हणटकच, धार्मीक प्रार्थनां हें फेस्तांचें आंग समाजीक सवस्तकाय निर्माण करता.

**लोकनाट्याचें सादरीकरण / संस्कृतीक दाखवण :**

'तियात्र' हो गोंयचो एक लोकप्रीय नाट्यप्रकार जावन आसा. मनोरंजनाच्या उद्देशान फेस्ता दिसा इगर्जांनी सांजेच्या वेळार इगर्जेच्या मुखार आशिल्ल्या सुवातेर तियात्राचें सादरीकरण जातालें. तियात्र हो लोक-संस्कृतायेचो एक म्हत्वाचो भाग जावन आसा देखून फेस्तां वेळार तियात्राच्या सादरीकरणांतल्यान गोंयचो हो लोकनाट्याचो प्रकार तिगोवन दवरपाचो यत्न पुर्वजांनी केल्लो आमकां दिसून येता जो आयज मेरेन चालूच आसा. हें लोकनाट्याचें सादरीकरण पळोवपाक सगळ्या धर्माचे लोक येतात आनी थंय एक संस्कृतीक एकचार घडटा.

**फेस्तांतलो धार्मीक एकचार :**

गोंयांत वेगवेगळ्या धर्मांचे लोक रावतात. फेस्तांच्या निमतान धार्मीक एकवट आमकां दिसून येता. फेस्ताच्या दिसा वेगवेगळ्या धर्मांचे लोक खुर्साक, सायबिणीक वा संतांक पांय पडपाक तशेंच आपलीं मागणीं घेवून आयिल्ले आमकां दिसतात. हाची एक देख म्हणल्यार सांत फ्रांसीस शाव्हियराच्या फेस्ताक गोंयचे तशेंच गोंयचे भायले, वेगवेगळ्या धर्मांचे लोक येतात. हाचेवेल्यान धर्मां मदीं आशिल्लो एकवट आमकां दिसून येता. प्रस्तूत फेस्तां धर्मांमदले भेद ना करता, म्हणटकच धार्मीक एकचार हो एक म्हत्वाचो वांटो आसा.

**फेस्तांतलीं पारंपारीक खाणां - जेवणां :**

सान्नां, सोरपातेल, रोलाद सारकिल्ले खावपाचे पदार्थ पुर्तुगेज काळार सावन फेस्ताच्या दिसा करतालीं.[1] हे पदार्थ पुर्तुगेजांनी गोंयांत हाडले. पुर्तुगेज काळांतलो समाज आनी आतांचो समाज हातूंत खूब फरक आसा. आयज जरीय आमचो समाज 'मोर्डन' जाला तरी पूण फेस्ताच्या दिसा हेर साबार आधुनीक जेवणां खाणां वांगडा सान्नां, सोरपातेल, रोलाद सारकिल्ले पारंपारीक पदार्थ जेवणाच्या मेजार आसताच. क्रिस्ती समाजाची मुळां आयज लेगीत परंपरेंत रीगिल्लीं आमकां दिसतात. हें अन्न संस्कृतीचें आंग प्रस्तूत फेस्तां निमतान उजवाडाक येता तशेंच नवे पिळगेमेरेन पावता.

**समाजीक संदेश :**

साश्टी वाठारांतल्या दर एका फेस्तांनी वा धर्मीक उपक्रमांनी सदांच एक व्हड सामाजीक संदेश दिवपाचो वावर जाल्लो आसा. क्रिस्ती धर्मांतल्या प्रत्येक संताचें जिवीत लोकांक एक देख जावन आसा. हे संत आमच्या सारकिल्ले सादारण मनीस जावन आसात. सगळ्या संतांनी आपल्या जिवितांत कश्ट वा त्रास सोंसल्यात. हातूंतले कांय संत देवाची शिकवण लोकांक दिवपाक देसा-देसांनी गेले, कांय जाणांनी जेझूच्या मोगा पासत दुवेंत आशिल्ल्यांची सेवा केली जाल्यार कांय जाणांक देवाची शिकवण दुसऱ्यांक दिल्ले खातीर आपलो जीव वगडावन मार्तीर जांवचें पडलें. ‘मार्तीर’ हाका इंग्लीशींत ‘मार्टर्स’ अशें म्हणटात. देवाची शिकवण दिवपी मनशाक, ही शिकवण दिता देखून कांय सुवार्थी लोक तांकां जिवेशी मारताले. त्या संतांनी देवाक लागून आपल्या जिवाची लेगीत परवा करूंक ना देखूनच तांकां ‘मार्तीर’ म्हणटात. देख :- सांत सेबास्तियांव हो एक मार्तीर जावन आसा. गरजेवंतांक तशेंच दुयेंत लोकांक आदार दिवपाचो समाजीक संदेश आमकां सांत जुझे वाझ सारकिल्ल्या संताकडल्यान मेळटा जाणें ‘ओशाचे’ पिडेक सांपडिल्यांची सेवा केली आनी समाजाक एक देख जालो.[2]

**फेस्तांनी केल्ली सैमाची जतनाय :**

साश्टी वाठारांतल्या क्रिस्ती धर्मांतल्या फेस्तांनी सैम, पर्यावरण वा लोक-संस्कृताय हांची जतनाय घेवपाचो मार्ग सुचयला. कसलोय समारंभ

करतलीं जाल्यार सजावट करची पडटा. ही सजावट फेस्ताच्या दिसा सैमसुसंगत वस्तू वापरून करतालीं देखीक : इगर्जेच्या मुखार मल्लांचो माटोव घालतालीं, प्रवेश दाराकडेन कोंडयाचो आर्क करतालीं तशेंच बोंदेरां लायतालीं. सजावटी खातीर ह्यो सगळ्यो वस्तू वापरिल्ल्यान सैमाचो कांयच नाश जायनासलो. सैमाची जतनाय घेवपाचें, मनीस जातीचें कर्तव्य हातूंतल्यान आमकां दिश्टी पडटा. हो परिस्थितिकीचो विचार हांगा म्हत्वाचो दिसता.

**फेस्तांनी फुलयल्लें लोकांचें समाजीकरण :**

इगर्जेच्या, कोपेलाच्या वा खुर्साच्या फेस्ताची तयारी करपाक त्या गांवचो सगळो लोक एकठांय येतात. हातूंतल्यान लोकांचो एकामेका कडेन संपर्क येता आनी हीं फेस्तां लोकांच्या समाजीकरणाचें एक माध्यम जाता. देखीक : सगळो लोक एकठांय येवन इगर्ज साफ करतात, नोवेनाच्या मिसाची मांडावळ करतात आदी.

**फेस्तांतली आर्थीक मदत :**

साश्टी वाठारांतल्या फेस्तां मदीं दिसून येवपी आनीक एक गजाल म्हणल्यार तातूंतली अर्थीक मांडणी. फेस्ताच्या दिसा ल्हान व्हड फेरी येता. ह्या फेस्तां वरवीं फुलां आनी मेणवाती विकपी लोकांक, खाजेकारांक, चणे-भिकणां तशेंच खेळणीं विकपी लोकांक आर्थीक वाटेंतल्यान मदत जाता.[3] ह्या फेस्तांच्या निमतान चार पयशे जोडून आपलो घर-संवसार चलोवपाक ह्या लोकांक आदार मेळटा. सर्वसामान्याक

अर्थीक मदत करपी आनी ताका ताच्या वाठारांत आत्मनिर्भर करपी हो मुद्दो हांगा म्हत्वाचो दिसता.

**फेस्तां मदल्यो नश्ट्यो परंपरा :**

फेस्तांक लागून कांय नश्ट्यो परंपरा लोकां मदीं चालू आशिल्ल्यो दिसून येतात. ह्या परंपरेक इगर्ज परवानगी दिना कारण हांकां लागून मनशाच्या जिवाक धोको आसता. असलीच एक लोकां मदीं फामाद आशिल्ली परंपरा म्हणल्यार सांजांवा दिसा 'बांयत उडी मारप'.[4] हे परंपरेक लागून खूबशा लोकांचो खास करून तरणाट्यांचो जीव गेल्लो आसा. आतां एक ल्हानसो बदल जो आमकां कमी प्रमाणांत दिसता तो म्हणल्यार 'स्विमींग पुलांत' उडी मारून सांजांव मनोवप. नश्ट्यो परंपरा बदं करपाचो हो एक ल्हानसो यत्न खूब कमी प्रमाणांत दिसता. साश्टी वाठारांतल्या फेस्तां मदली ही गजाल हांगा मतींत दवरपाक जाय.

**फेस्तांच्या आयोजना फाटलो सकारात्मक विचार :**

आदल्या तेंपार लोक खूब शिकिल्ले नाशिल्ले पूण तांकां खूब ज्ञान आशिल्लें. पावसाच्या दिसांनी खाणां जेवणांच्यो वस्तू सोंपेपणान मेळनाशिल्ल्यान ह्या वस्तूंचो पुरुमेंत करून दवरताले.[5] मडगांवचें 'इस्पिसांताचें फेस्त' पावसा पयलीं आशिल्ल्यान फेस्ताच्या निमतान लोक फेऱ्येंत विकरेक आशिल्लें खारें, सोल्लां, आमटाण आदी वस्तूंचो पुरुमेंत करताले जें आजूनय करतात. पावसाच्या दिसांनी लोकांचे अन्ना खातीर हाल जांवचे न्हय हो ह्या पुरूमेंता फाटलो विचार आशिल्लो. इगर्जेच्या

फेस्तांनी साबार जाती धर्माच्या लोकांक आसपावून घेवपी हो विचार हांगा म्हत्वाचो.

**साश्टी वाठारांतल्या फेस्तांचीं नांवां :**

साश्टी वाठारांतलीं फेस्तां आनी तांचीं नांवां जायते समाजीक आनी संस्कृतीक विचार मुखार व्हरतात. कांय फेस्तांक विशिश्ट घडणूकेंतल्यान नांवां पडिल्लीं आमकां दिसून येतात देखीक, सांत जोकींच्या फेस्ताक पेरां विकरेक हाडटालीं देखून ताका 'पेरांचें फेस्त' म्हणटात. गोरबेस्त सायबिणीच्या फेस्ताक केळ्यांची पावणी आशिल्ल्या कारणान ताका 'केळ्याचें फेस्त' म्हणटात.[6] इस्पिसांताच्या फेस्ता निमतान लोक पुरुमेंत करताले देखून ताका 'पुरुमेंताचें फेस्त' म्हणटात. त्याच तरेन नेवीस सायबिणीच्या फेस्ताक पयलें कणस कापतात म्हण ताका 'कोणसाचें फेस्त' म्हणटात.

**साश्टी वाठारांतल्या फेस्तांतली आंगवण :**

कोणेंय आमकां आदार केलो जाल्यार ताका आमी 'देव बरें करूं' म्हणटात. संताकडेन, सायबिणीकडेन, खुर्साकडेन वा जेझूकडेन मागिल्ल्यो वस्तू मेळ्यो जाल्यार आपूण अमकेंच दितलो वा दितलें, करतलो वा करतलें म्हण आंगवण करतात. मागिल्ल्यो वस्तू मेळ्ळ्या उपरांत आंगवण फारीक करप खूब गरजेचें. देखीक एका गिरेस्त मनशान सांत आंतोनी कडेन एक मागणें केल्लें आनी तें मागणें पुराय जालें जाल्यार आपूण कट्टी घेवून भीक मागतलो अशें म्हणलें. ताचें मागणें पुराय जाल्ल्यान

सांत आंतोनीच्या फेस्ताक मिसा उपरांत कट्टी घेवून तो प्रवेश दाराकडेन उबो रावलो. ही घडणूक कांय वर्सां फाटी आकेंच्या कोपेलांत घडली म्हणटकच, आंगवण सारक्यो गजाली लेगीत ह्या साश्टी वाठारांतल्या फेस्तांनी एक नवें कितें तरी सांगता.

**फेस्तांतली परंपरा वा रिती रिवाज :**

थोड्या फेस्तांची कांय विशिश्ट परंपरा आसतात. देखीक सांजावाक लोक 'कोपेलां' करून माथ्यार घालतात, सगळीं एकठांय येवन वाड्या वाड्यांनी लोकांच्या घरा घरांनी वतात, 'माडाचे पिडो' जमनीर आपटून ओ रे सांजाव अशें म्हणटात. दारांत आयिल्ल्या ह्या लोकांक फेणीं, पयशे वा फळां दितात. ह्या फेस्ताक नवीच काजार जाल्ल्या जोडप्याक चलयेच्या घरा आपोवणें आसता. नवोच काजार जाल्ल्या जांवयाक फळां, फुलां आनी सांत जुवांवाची वाल वापरून तयार केल्लें कोपेल घालप जाता आनी ताणें बांयत उडी मारप आसता. ह्या समारंभा उपरांत काजार जाल्लें जोडपें घरा परतता तेन्ना चलयेची आवय बापूय तांकां तरेकवार फळांचें (अनसां, आंबे, केळीयां, पणस) 'वोजें' दितात.[7] हें 'वोजें' चल्याच्या सोयऱ्यांक आनी शेजारच्या लोकांक वांटतात.

**5.2 समारोप :-**

प्रस्तूत प्रबंधिकेंत 'साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो संस्कृतीक आनी समाजीक अभ्यास' करून 'साश्टी वाठाराची वळख', 'क्रिस्ती धर्मांतल्या वेंचीक फेस्तांची वळख' आनी 'साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांची

धार्मीक आनी संस्कृतीक वळख' ह्या वेगवेगळ्या विशयांचेर उजवाड घातला. गोंयांत संस्कृतायेचो भाग म्हणून फेस्तांचो समारंभ जाता पूण म्हत्वाची गजाल म्हणल्यार ह्या फेस्तांच्या समारंभा फाटले कांय समाजीक उद्‌देश आसात जे ह्या प्रबंधिकेवरवीं सोदून काडपाचो प्रयत्न केल्लो आसा. साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचो अभ्यास करतना समाजीक नदरेंतल्यान ताची चिकित्सा करपाचो यत्न केल्लो आसा. फेस्तांच्या समारंभांतल्यान समाजीक उन्नतिचें काम जाता हें ह्या विशयाचो अभ्यास करतना लक्षांत आयलें. ह्या प्रबंधिकेवरवीं साश्टी वाठारांतल्या मुखेल फेस्तांचें दस्तावेजीकरण करपाचो यत्न केल्लो आसा.

**संदर्भवळेरी :-**


1. Rodrigues, Maria. Feasts, festivals and observances of Goa. L&L Publications, Merces Tiswadi, 2004,pg.86.
2. Gomes, Fr. Luis. Boddvo Iadnik. New age printers, verna, 2010,66.
3. आदलोच संदर्भ, Rodrigues, Maria. Feasts, festivals and observances of Goa. L&L Publications, Merces Tiswadi, 2004,86.
4. दळवी, सतीश. गोंयचे सण, उत्सव आनी व्रतां. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय, 77.
5. आदलोच संदर्भ, Rodrigues, Maria. Feasts, festivals and observances of Goa. L&L Publications, Merces Tiswadi, 2004,86.

6. Almeida, Celina. “Curtorim’s Kelleam Fest”. GOA TODAY, December 2008,34.
7. आदलोच संदर्भ, Rodrigues, Maria. Feasts, festivals and observances of Goa. L&L Publications, Merces Tiswadi, 2004,127.

# आदारावळ :-

## कोंकणी :-


- दळवी, सतीश. *गोंयचे सण, उत्सव आनी व्रतां*. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव गोंय.
- द सोजा, मोरेन. *गोंयचो सायब (सांत फ्रांसिस्क शाव्येर)*. टॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र, आल्त पर्वरी, 2004,
- Altaide, Fr. Mousinho. *Bhag. Juze vaz:Jezucho ani Moriecho Gulam.* THIRD MILLENNIUM, panjim, 2015.
- Gomes, Fr. Manuel. *Bhagevontanchim Bhagi pavlam (Tisro Bhag)*. Anjoy, 2017.
- Gomes, Fr. Luis. *Boddvo Iadnik*. New age printers, verna, 2010.
- Gomes, Fr. Luis. *Kampinnkar – Sant francis xavierachem choritr.* Konknni mogi prokaxon, karai shiroda, 2014.


## इंग्लिश :-


- Almeida, Celina. “Curtorim's Kelleam Fest”. GOA TODAY, December 2008.
- Cardozo, Fr. Barry. Directory 2021-2022. Diocesan centre for social communications media, Altinho Panjim, 2021.
- Gonsalves, Michael. “Raia’s Harvest Fest : A festival of eco – Spirituality”. GOA TODAY, September 2007.
- Khedekar, Vinayak. *Goa-Land, Life and Legacy*. Sanskruti Bhavan, Patto Panaji, 2016.

- Lourenco, Jose. *The Parish churches of Goa*. Amazing Goa Publications, Comba Margao, 2005.
- Paiva, Maria, Malkarnekar, Sneha. *Goa Today – Articles on villages of South Goa*. Goa state central Library in-house publication no. 11,Panjim,2014.
- Rodrigues, Maria. *Feasts, festivals and observances of Goa*. L&L Publications, Merces Tiswadi, 2004.


**वेबसाईट** :-


- https://www.youtube.com/live/ElGqO8GB_OE?si=ufUGQvTRaOLLig3O
- https://www.stanthony.org/who-st-anthony/
- https://www.figliedellachiesa.org/en/blog-en/spirituality/st-sebastian.html
- https://en.m.wikipedia.org/wiki/Our_Lady_of_Guadalupe
- https://en.m.wikipedia.org/wiki/Our_Lady_of_F%C3%A1tima
- https://ollsm.com/story-of lourdes#:~:text=Our%20Lady%20of%20Lourdes%20is,properties%2C%20active%20to%20this%20day.
- https://youtu.be/ctBRaOJTj3Q?si=4h1VT0XAExoIG9BW
- https://en.m.wikipedia.org/wiki/Salcete#:~:text=Salcete%20taluka%20comprises%20nine%20comunidades,the%202011%20Census%20of%20India
- https://images.app.goo.gl/bcmy3uLBgyMbh1Sr8
- https://images.app.goo.gl/9bP7r1j1g2Vsj2EL7
- https://vailankanni.info/apparitions-of-our-lady-of-health/
- https://www.vibrantgoa.com/history-of-goa/

- https://en.m.wikipedia.org/wiki/Salcete#:~:text=Salcete%20taluka%20comprises%20nine%20comunidades,the%202011%20Census%20of%20India
- https://timesofindia.indiatimes.com/city/goa/the-true-soul-of-goas-south/articleshow/45589608.cms
- https://www.censusindia.co.in/states/goa
- https://youtu.be/ln2j44St_lI?si=oStyW-y6cVslP7J-
- https://youtu.be/koSWgfvL30c?feature=shared
- https://youtu.be/ITw42f17CPU?si=5eEYbZ75uyEOwtPf
- https://youtu.be/XQQysOsG_Us?si=0mA7_pxzy4aXgfHk
- https://youtu.be/o5zMyUKHOEo?si=Fs77vPE3QDKhs9xg

# परिशिश्ट

1. मुलाखती
2. उतरावळ
3. फोटो

# 1. मुलाखती :-

- फा. लेज्ली गोम्स, वय : 31, ता : 18 जानेवारी 2024, आंबले, गोंय.
- सेरा फेर्नांडीस, वय : 70, ता: 27 जानेवारी 2024, आर्के, गोंय.
- आंतोनेत फेर्नांडीस, वय : 75, ता: 27 जानेवारी 2024, आर्के, गोंय.
- क्रायफ परेरा, वय : 23, ता: 30 जानेवारी 2024, कुडतरी, गोंय.
- फिदेलीना फेर्नांडीस, वय : 84, ता: 4 फेब्रुवारी 2024, मडगांव, गोंय.
- क्रिस्तीना रोड्रिगीस, वय : 80, ता: 18 फेब्रुवारी 2024, उतोर्डा, गोंय.
- फ्रांसिस्का गोम्स, वय : 74, ता: 19 मार्च 2024, बोर्डा, गोंय.
- लुसियानो डायस, वय : 76, ता: 24 मार्च 2024, मडगांव, गोंय.
- मान्युएलीना सिक्वेरा, वय : 52, ता: 26 मार्च 2024, कोल्यांदोंगोर राय, गोंय.
- बेनेदीतो फेर्नांडीस, वय : 62, ता: 26 मार्च 2024, केवोन राय, गोंय.

## 2. फेस्तां संबंदीत कांय विशिश्ट उतरावळीचें संकलन :-

| कोंकणी उतरावळ | इंग्लीश उतर |
|---|---|
| फेस्त | Feast |
| नोवेन | Novena |
| त्रेजेन | Trezen |
| त्रिदूम | Novena of 3 days |
| इमाज | Statue |
| वेदी सेवोक | Alter servers |
| इरमांव | Confraria |
| पालकी | Palanquin |
| माडी | Blessing of the banner |
| पेगातोर (यादनीक) | Preacher (Priest) |
| आंज | Angel |
| यादनीकाची सेवाधर्मीक न्हेसवण | Vestments |
| गायन मंडल | Choir |
| पिरजेंत | President |

| | |
|---|---|
| पुरसांव | Procession |
| लादीन | Litany |
| आंगवण | Vow |
| मेदाल | Medal |
| तेर्स | Rosary |
| मागणें | Prayer |
| गायन/गायोन | Hymn |
| फाम | Fama |
| पात्रोन | Patron |
| बेस्प्र | Vespers |
| साल | Salve |
| फेरी | Fair |
| मार्तीर | Martyr |

## 3. फोटो :-

- **सायबिर्णींचे फोटो :-**





**कार्म सायबीण** **रूजाय सायबीण**

- **सांताचे फोटो :-**






**सांत आंतोन** **सांत जुझे वाझ**




सांत फ्रांसीस शाव्हिएर



सांत सेबास्तियांव

- **खुर्सांचे फोटो :-**



हांडी खुरीस



बाराडी खुरीस

- **साश्टी वाठारांत मनयिल्ल्या कांय हेर मुखेल फेस्तांचे फोटो :-**



**कोणसाचें फेस्त**



**तीन रायांचें फेस्त**






**मिनीन जेझूचें फाम**



PURUMENT: A TRADITION LIVES ON...

The feast of the Holy Spirit Church, popularly known as Purumentachem fest, was celebrated with religious fervour and gaiety in Margao on Sunday. While thousands of devotees participated in the religious services since early morning, many flocked to the fair to make provisions for the monsoons. Our lensman **Santosh Mirajkar** captured a few moments of the festivities

**पुरुमेंताचें फेस्त (इस्पिसांताचें फेस्त)**






**सांजाव (सांत जुवांवाचें फेस्त)**





**'केळ्यांचें फेस्त' (ग्वादालूप सायबिणीचें फेस्त)**






**'पेरांचें फेस्त' (सांत जोकींचें फेस्त)**

- **फेस्तांतली पारंपारीक खाणां - जेवणां :-**



**पातोळ्यो**



**सान्नां**



**सोरपातेल**

- **फेस्ताची फेरी :-**



